ಸವೊ ಘೊಸ್ ಕಾಣಿಯೊ


सवो घोस काणियों

ಬರಯ್ಣಾರ್ :

ಜೆ. ಸ. ಸ್ವಾಮಿ ಸುಪ್ರಿಯ

बरयणार :

जे. स. स्वामी सुप्रिय



ಪ್ರಗಟ್ಣಾರ್ :

ಪುನವ್ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಮಂಗ್ಳೂರ್ – 575002

ಜೂನ್ 1982

प्रगटणार :

पुनव प्रकाशन

मंगळूर – 575002

जून 1982

ಸವೊ ಘೊಸ್ ಕಾಣಿಯೊ

सवो घोस काणियों


ಬರಯ್ಣಾರ್ :

ಜೆ. ಸ. ಸ್ವಾಮಿ ಸುಪ್ರಿಯ

बरयणार :

जे. स. स्वामी सुप्रिय





ಪ್ರಗಟ್ಣಾರ್ :

ಪುನವ್ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಮಂಗ್ಳೂರ್ – 575002

ಜೂನ್ 1982

प्रगटणार :

पुनव प्रकाशन

मंगळूर – 575002

जून 1982

Sovo Ghos Kanniyom, sixth bunch of stories for children, written by Swami Supriya, S.J. (Fr C.C.A.Pai, S.J.) in the Konkani language using the Kannada and Devanagri scripts.
Published by Punov Prakaxan, Mangalore 575002. June 1982.
Pages : 63 Price : Rs. [redacted]-

Cum permissu Superiorum

Illustrations by Fr C.C.A.Pai, S. J.

Cover Designed by Fr C. C. A. Pai, S. J.

Printed at :
Sivasankar Printers, (formerly Vinay Printers)
Hebballi Agasi,
Dharwad.

ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಪಾನಾಂನಿ भितरल्या पानांनि

1. ರುವಾಂ ವಯ್ಲೆ ಮುಸ್.
   रुवां वयले मुस.
2. ಬಳಾಕ್ ಯುಕ್ತಿಚೊ ಸಾಂಗಾತ್.
   बळाक युक्तिचो सांगात.
3. ಕೊಲ್ಯಾಂಕ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಕೆಲೆ.
   कोल्यांक मांकोड केले.
4. ಖಾಂವ್ಚೆಂ ಬರೆಂಗಿ ಘೊಳ್ಚೆಂ ಬರೆಂ ?
   खावंचें बरेंगी घोळचें बरें ?
5. ಸಯ್ಲಾಪಾಚಿ ಬಲಿ.
   सयलापाची बली.
6. ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್.
   मोत्यांचो सर.
7. ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಕ್ ಹಸ್ತ್ ಭಿಯೆಲಿ.
   माणक्याक हस्त भियेली.
8. ಅಂಗಾಲಾಪಾಕ್ ನಿರಾಶಾ.
   अगालापाक निराशा.
9. ಜಿದ್ದಾಕ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾರ್ ?
   जिद्दाक पडल्यार ?
10. ತೀನ್ ಭಾಂಗ್ರಾಳಿಂ ಸತಾಂ.
    तीन भांग्राळिं सतां.
11. ಶಾಣೊ ಮಾಂಕೊಡ್.
    शाणो मांकोड.
12. ದೊಗ್ ಭಾವ್
    दोग भाव
13. ವಾಚಾಳಿ ವಾಲ್ಲು ಬುಧ್ ಶಿಕ್ಲೊ.
    वाचाळी वाल्लु बुध शिकलो.
14. ಬೊಕ್ಡೆಚೆಂ ಗಾಯನ್.
    बोकडेचें गायन.



1 रुवां वयले मुस

तो एक व्हडल्या फिदालगाचो बोंगलो. बोंगल्याच्ये गेटि कडेन सदांच एकलो भिक मगतलो पडोन आसलो. भुकेत तो कगाल जाल्लो. आंग ताचें रुवांनी भर्लेलें. त्ये दुकिन वळवळोन तो रड्टालो। ताचेर बिर्मत पावतलो कोण नासलो. आप्रूप एकली म्हातारी मात्र ताका कांय इल्लें खावंक दिताली.

एक दीस त्या भिकाऱ्यान व्हडली किंक्राट मार्ली. आयकोन थोडो लोक थंय जम्लो. हरयेकलो गजाल कितें म्हण विचार करी. " बाबा दीस भर हांगा हांव पडोन आसां कोण म्हजे कुमकेक येना. आतां थोडे दीस थावन व्हो एकमो येता आनी म्हज्या रूवा वयले मुस आंबुड्टा. नाका म्हळ्यार आयकाना देखून हावें किंक्राट मार्ली".

"अरे पिश्या, मुस आंबुडलेले तुका बरेंच जालें नहिवेरे? ताणे तुका दयाळायि दाकयली. ताचो तुं उपकार बावुडनास्ताना, तुं उप्राटी किंक्राट कित्याक मार्तायिरे ?" थंय जम्लेल्यां पैकि एकल्याचें सवाल ह्यें. हाका तो भिकारी म्हणा: "कसली दयाळायि आबा ति? म्हाका हांगासर वळवळे चड जावन जीव वेता".

तें आयकोन सगळे अजाप! अरे तुज्या घायां वयले मुस आंबुड्ल्यार तुका सुशेग जायनावेरे ? तुजे वळवळे चड जाबंचे



1 ರುವಾಂ ವಯ್ಲ್ಲಿ ಮುಸ್

ತೊ ಏಕ್ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಫಿದಾಲ್ಗಾಚೊ ಬೊಂಗ್ಲೊ. ಬೊಂಗ್ಲ್ಯಾಚೆ ಗೆಟಿಕಡೆನ್ ಸದಾಂಚ್ ಏಕ್ಲೊ ಭಿಕ್ ಮಾಗ್ತಲೊ ಪಡೊನ್ ಆಸ್ಲೊ. ಭುಕೆನ್ ತೊ ಕಂಗಾಲ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಆಂಗ್ ತಾಚೆಂ ರುವಾಂನಿ ಭರ್ಲ್ಲೆಂ. ತ್ಯೆ ದುಕಿನ್ ವಳ್ವಳೊನ್ ತೊ ರಡ್ಟಾಲೊ. ತಾಚೆರ್ ಬಿರ್ಮತ್ ಪಾವ್ತಲೊ ಕೊಣ್ ನಾಸ್ಲೊ. ಆಪ್ರುಪ್ ಏಕ್ಲಿ ಮ್ಹಾತಾರಿ ಮಾತ್ರ್ ತಾಕಾ ಕಾಂಯ್ ಇಲ್ಲೆಂ ಖಾಂವ್ಕ್ ದಿತಾಲಿ.

ಏಕ್ ದೀಸ್ ತ್ಯಾ ಭಿಕಾರ್ಯಾನ್ ವ್ಹಡ್ಲಿ ಕಿಂಕ್ರ್ಯಾಟ್ ಮಾರ್ಲಿ. ಆಯ್ಕೊನ್ ಥೊಡೊ ಲೊಕ್ ಥಂಯಸ್ ಜಮ್ಲೊ. ಹರ್ಯೆಕ್ಲೊ ಗಜಾಲ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ವಿಚಾರ್ ಕರಿ. "ಬಾಬಾ, ದೀಸ್ ಭರ್ ಹಾಂಗಾ ಹಾಂವ್ ಪಡೊನ್ ಆಸಾಂ. ಕೊಣ್ ಮ್ಹಜೆ ಕುಮ್ಕೆಕ್ ಯೆನಾ. ಆತಾಂ ಥೊಡೆ ದೀಸ್ ಥಾವ್ನ್ ವ್ಹೊ ಏಕ್ಲೊ ಯೆತಾ ಆನಿ ಮ್ಹಜಾ ರುವಾಂ ವಯ್ಲ್ಲಿ ಮುಸ್ ಆಂಬುಡ್ತಾ. ನಾಕಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಆಯ್ಕಾನಾ. ದೆಕುನ್ ಹಾವೆಂ ಕಿಂಕ್ರ್ಯಾಟ್ ಮಾರ್ಲಿ."

"ಅರೆ ಪಿಶ್ಯಾ, ಮುಸ್ ಆಂಬುಡ್ಲೆಲೆ ತುಕಾ ಬರೆಂಚ್ ಜಾಲೆಂ ನಹಿಂವೆರೆ ? ತಾಣೆ ತುಕಾ ದಯಾಳಾಯಿ ದಾಕಯ್ಲಿ. ತಾಚೊ ತುಂ ಉಪ್ಕಾರ್ ಬಾವ್ರುಡ್ನಾಸ್ತಾನಾ, ತುಂ ಉಪ್ರ್ಯಾಟಿ ಕಿಂಕ್ರ್ಯಾಟ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮಾರ್ತ್ಯಾಯ್‌ರೆ ?" ಥಂಯಸ್ ಜಮ್ಲ್ಲಲ್ಯಾಂ ಪೈಕಿ ಏಕ್ಲ್ಯಾಚೆಂ ಸವಾಲ್ ಹ್ಯೆಂ. ತಾಕಾ ತೊ ಭಿಕಾರಿ ಮ್ಹಣಾ : ಕಸಲಿ ದಯಾಳಾಯಿ ಬಾಬಾ ತಿ ? ಮ್ಹಾಕಾ ಹಾಂಗಾಸರ್ ವಳ್ವಳಿ ಚಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಜೀವ್ ವೆತಾ."

ತೆಂ ಆಯ್ಕೊನ್ ಸಗ್ಳೆ ಅಜಾಪ್. "ಅರೆ ತುಜಾ ಘಾಯಾಂ ವಯ್ಲ್ಲಿ ಮುಸ್ ಆಂಬುಡ್ಲ್ಯಾರ್ ತುಕಾ ಸುಶೆಗ್ ಜಾಯ್ನಾವೆರೆ ? ತುಜೆ ವಳ್ವಳಿ ಚಡ್ ಜಾಂವ್ಚ್

म्हळ्यारी कशेरे ?" "व्हय बाबा, व्हय. तुमी केल्लें सक्कड बरेंच म्हण तुमी चिंतचें. हेणे पेल्याचो जीव गेल्यारी तुमकां खबरच ना. पळेया ते म्हज्या घायांचेर बसलेले मुस. ते कितले तंड आसात! ते पोट भर खावन धादोशी जाल्यात. आतां तांकां उठवन धावंडायश्यात तर, नवे मुस येवन बसतातगी ना ? ते भुकेल्ले मुस म्हजें रगत समेत चिंवंतात. तवळ म्हाका वळवळे नहिं तर सुख म्हण चिंतातगी? आनी किते रातदीस तुमी किते म्हजे मुस अंाबुडुवनच बसतातवे? " पाटिं सवाल त्या भिकाऱ्याचें.

भिकाऱ्याचें तर्क सारकें आसलें आपुण त्या भिकाऱ्याक पळेवन ताच्या रूवांच्ये घाणिक नाक धरून चल्ललो उगडास तांकां आयलो. लजेन तकली पंदाक घालून पाटल्या पायांनी ते थंय थावन निकाळ्ळे.

सुमार तीनशि वरसां आदिं, म्हण्जे संात जुवांव बिरिताच्या काळार गोयांत हि काणी सांगताले खंय. आजुन आमी ति सांगयत नहिंगी ?

2 वळाक युक्तिचो सांगात

त्या रानांत एक हस्त आनी एक मांकोड आसले. अधिक मोगाचे इष्ट ते. तांचो इष्टगत फडूक कोलो आयलो. हस्त एकलीच आस्ताना तो हस्तिक सांगता : "तूं कितलो बळवंत, राया ! तुजे तसल्याक त्या मांकडा थावन कसलो फायदो ? त्या बुरशाचो सांगात सोड पळेवयां !"

तसोच तो कोलो मांकडाक सांगता: "अरे इष्टा, ति हस्त आसा पळे, ति बजी बड्डा. तुजे तसल्या चलाकेच्याक त्ये हस्तिची इष्टगत बिल्कूल सोभानां. सोडून सोड पळेवयां ति !"

अशें कोल्याच्या शितऱ्यांनी हस्ति आनी मांकडा मधें पिडपिडलें. हस्त म्हण्टा आपुण व्हड. मांकोड बासता आपुण व्हड. तांचें झगडें संपलेंना. तवळ दोगय जण त्याच रानांतल्या गुगी सरशिं वचोन आपल्या झगड्याचो न्याय कर म्हूण मागतात.

गुग बावडी अधि जेमेवन आलोचेन करता. आखेरिक ति तांकां

ವ್ಹಳ್ಯಾರೀ ಕಶೆರೆ ? " "ವ್ಹಯ್ ಬಾಬಾ, ವ್ಹಯ್. ತುಮಿ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಸರ್ಕಡ್ ಬರೆಂಚ್ ವ್ಹಣ್ ತುಮಿ ಚಿಂತ್ಜಂ. ಹೆಣೆ ಪೆಲ್ಯಾಚೊ ಜೀವ್ ಗೆಲ್ಯಾರೀ ತುಮ್ಕಾಂ ಖಬರ್ಚ್ ನಾ. ಪಳೆಯಾ ತೆ ವ್ಹಜಾ ಘಾಯಾಂಚೆರ್ ಬಸ್ಲೆಲೆ ಮುಸ್. ತೆ ಕಿತ್ಲೆ ತಂಡ್ ಆಸಾತ್! ತೆ ಪ್ರೊಟ್ ಭರ್ ಖಾವ್ನ್ ಧಾದೊಶಿ ಜಾಲ್ಯಾತ್. ಆತಾಂ ತಾಂಕಾಂ ಉಠವ್ನ್ ಧಾಂವ್ಡಾಯ್ಯಾತ್ ತರ್, ನವೆ ಮುಸ್ ಯೆವ್ನ್ ಬಸ್ತ್ಯಾತ್ಗಿ ನಾ ? ತೆ ಭುಕೆಲ್ಲೆ ಮುಸ್ ವ್ಹಜೆಂ ರಗತ್ ಸಮೇತ್ ಚಿಂವ್ತಾತ್. ತವಳ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವಳ್ವಳೆ ನಹಿಂ ತರ್ ಸುಖ್ ವ್ಹಣ್ ಚಿಂತಾತ್ಗಿ ? ಆನಿ ಕಿತೆಂ ರಾತ್ ದೀಸ್ ತುಮಿ ಕಿತೆಂ ವ್ಹಜೆ ಮುಸ್ ಆಂಬ್ಡಾವ್ನ್ಚ್ ಬಸ್ತ್ಯಾತ್ವೆ ?" ಪಾಟಿಂ ಸವಾಲ್ ತ್ಯಾ ಭಿಕಾರ್ಯಾಚೆಂ.

ಭಿಕಾರ್ಯಾಚೆಂ ತರ್ಕ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಆಸ್ಲೆಂ. ಆಪುಣ್ ತ್ಯಾ ಭಿಕಾರ್ಯಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್, ತಾಚಿಾ ರುಮಾಂಚ್ಯೆ ಘಾಣೆಕ್ ನಾಕ್ ಧರುನ್ ಚಲ್ಲಲೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ತಾಂಕಾಂ ಆಯ್ಲೊ. ಲಜೆನ್ ತಕ್ಲಿ ಪಂಧ್ರಾಕ್ ಘಾಲುನ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಪಾಯಾಂನಿ ತೆ ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ನಿಕಾಳ್ಳೆ.

ಸುಮಾರ್ ತಿನ್ಶಿಂ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ, ವ್ಹಣ್ಜೆ ಸಾಂತ್ ಜುವಾಂವ್ ಬಿರಿತಾಚಾ ಕಾಳಾರ್ ಗೊಯಾಂತ್ ಹಿ ಕಾಣಿ ಸಾಂಗ್ತಾಲೆ ಖಿಂಯ್. ಆಜುನ್ ಆಮಿ ತಿ ಸಾಂಗ್ಯೆತ್ ನಹಿಂಗಿ ?


2 ಬಳಾಕ್ ಯುಕ್ತಿಚೊ ಸಾಂಗಾತ್

ತ್ಯಾ ರಾನಾಂತ್ ಏಕ್ ಹಸ್ತಿ ಆನಿ ಏಕ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಆಸ್ಲೆ. ಅಧಿಕ್ ಮೊಗಾಚೆ ಇಷ್ಟ್ ತೆ. ತಾಂಚಿ ಇಷ್ಟಗತ್ ಫಡುಂಕ್ ಕೋಲೊ ಆಯ್ಲೊ. ಹಸ್ತಿ ಏಕ್ಲಿಚ್ ಆಸ್ತಾನಾ ತೊ ಹಸ್ತಿಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾ : "ತುಂ ಕಿತ್ಲೊ ಬಳ್ವಂತ್ ರಾಯಾ! ತುಜೆ ತಸಲ್ಯಾಕ್ ತ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಕಸಲೊ ಫಾಯ್ದೊ ? ತ್ಯಾ ಬುರ್ಯಾಚೊ ಸಾಂಗಾತ್ ಸೊಡ್ ಪಳೆವ್ಯಾಂ."

ತಸೊಚ್ ತೊ ಕೋಲೊ ಮಾಂಕ್ಡಾಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾ : "ಅರೆ ಇಷ್ಟಾ, ತಿ ಹಸ್ತಿ ಆಸಾಪಳೆ, ತಿ ಬಜಿ ಬಡ್ಡಿ. ತುಜೆ ತಸಲ್ಯಾ ಚಲಾಕೆಚಾಕ್ ತ್ಯೆ ಹಸ್ತಿಚಿ ಇಷ್ಟಗತ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಸೊಭಾನಾ. ಸೊಡ್ನ್ ಸೊಡ್ ಪಳೆವ್ಯಾಂ ತಿ."


ಆಶೆಂ ಕೊಲ್ಯಾಚಾ ಶಿಂತ್ರ್ಯಾಂನಿ ಹಸ್ತಿ ಆನಿ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಪಿಂಡ್ಡ್ಲೆಂ. ಹಸ್ತಿ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಆಪುಣ್ ವ್ಹಡ್. ಮಾಂಕೊಡ್ ಬಾಸ್ತಾ ಆಪುಣ್ ವ್ಹಡ್. ತಾಂಚೆಂ ಜಗ್ಡೆಂ ಸಂಪ್ಲೆಂನಾ. ತವಳ್ ದೊಗ್ಯಿ ಜಣ್ ತ್ಯಾಚ್ ರಾನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಗುಗಿ ಸರ್ಶಿಂ ವಚೊನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಗ್ಡ್ಯಾಚೊ ನ್ಯಾಯ್ ಕರ್ ಮ್ಹಣ್ ಮಾಗ್ತ್ಯಾತ್.

ಗುಗ್ ಬಾವ್ಡಿ ಅರ್ಧಿ ಜೆವ್ನ್ ಆಲೊಚೆನ್ ಕರ್ತಾ. ಆಖೆರಿಕ್ ತಿ ತಾಂಕಾಂ



सांगा : "पळेया ह्यो न्हंयच्ये पलतडी तो आंब्या रूक आसा. ताचेर एकच एक आंबो आसा. तो हाडून येया, आनी हांव तुमचो न्याय करतां."

झगडें संपयजय जाल्यार दोगय तेणे गेले. हस्त उदकांत उपयेताना, तिच्ये पाटिर मांकोड बसोन दोगय उत्रोन गेले. आतां हस्त म्हणा "तुजी गरज ना म्हाका. तो रूक हांव आड घालतां



ಸಾಂಗ್ತಾ : "ಪಳೆಯಾ ಹ್ಯೆ ನ ಂಯ್ಚೆ ಪಲ್ತಡಿ ತೊ ಆಂಬ್ಯಾ ರುಕ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾಚೆ ಖಕ್‌ಟ್ ಏಕ್ ಆಂಬೆ ಆಸಾ. ತೊ ಹಾಡುನ್ ಯೆಯಾ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ತುವೆಂ ನ್ಯಾಯ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಜಸ್ಡಿಂ ಸಂಪಯ ... ಜಾಲ್ಯಾರ್ ... ಗ್ ಯಿ ತೆಣೆ ಗೆಲಿ ಹಸ್ತ್ ಉದ್ಯಾಂತ್ ... ತಿಚಿ ಪಾಟಿರ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ... ಹೊನ್ ದೊಗ್ ಯಿ ಉತ್ರ್ಯಾನ್ ... ಹಸ್ತ್ ... ಜಿ ... ನಾ ವ್ಯಾಕಾ ... ಹಾಂವ್

आंबो घेतां, आनी चलतां." तवळ मांकोड आपलें तोंड बावडें करून पळेता.

हस्तिन रुक आड घालोच. आनी आपले सोंड्येन ति तो आंबो सोधूंक लागली. रुक पडच्या रभसाक आंबो वचान सर्शिल्या कड शाच्या एका माट्यांत पडलो. हस्तिक थंय वचोंक पुणि जावंचें नहिं. आतां मांकोड जागो जालो. धांवोन वचोन ताणे तो आंबो हाडलो. अशें पर्तुन ते आयलेले वाटेन आनी आयलेले भाशेन पाटिं गेले. गुगिलागिं पावतच ते सांगतात, "सायबा, आमचो न्याय तुवें बरो करुन फायसल केलोय. आमकां दोगायंकयि एकामेकाची गरज आसा. आता आमचें झगडें संपलें. आनी आमी आदले प्रास चड लागशिले इष्ट."

अशें म्हण्टाना हस्तिन आपले सोंडयेन मांकडाक उकलून आपले पाटिर बसयलो, आनी हासोन नाचोन ते दोगय आपले वाटेन गेले.

3 कोल्यांक मांकोड केले

त्या गावांत कोल्यांचेंच राज. तांच्या हिकमत्यांनी हेर मन्जाती सगळ्यो कगाल जाल्ल्यो. पुण कोल्यांची वांकडी नदर विशेस जावन मांकडाचेर बसला.

मांकोड बावडे गावांत जांव रानांत जांव कोल्यां हुजिर तोंड दाकवंक जायनास्ताना लजेन सल्वाल्ले. भियान थर्थर्ताले. अशेंच चलात तर मांकडांचें सत्यनास जातेलें तें सकटांक दिसोंक लागलें.

एक दीस थोडे माल्घडे मांकोड सांगाता बसले आमी आमच्चा कुटमाची भद्रती पळेनांव तर, आनी काण भायले जण येवन आमकां राकतितगाय म्हण ताणी सवाल केलें. असल्या नालिसायेची परिस्थिति निवरावंक कोणाचो पुण सलाह आसा जाल्यार ताणे धयराद मुखार येजय म्हण ताणी दांगरो फेरायलो.

तवळ एकलो तर्नो मांकोड मुखार सरलो. ल्हान प्राये रच तो चलाकेचो म्हण नांवाडललो. तुमीं म्हाका पात्येवन

ಆನ್ ಘಾಲ್ತಾಂ, ಅಂಬೊ ಘೆತಾಂ, ಆನಿ ಚಲ್ತಾಂ." ತವಳ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಆಪ್ಲೆಂ ತೋಂಡ್ ಬಾಪ್ಡೆಂ ಕರುನ್ ಪಳೆತಾ,

ಹಸ್ತಿನ್ ರುಕ್ ಆಡ್ ಘಾಲೊಚ್. ಆನಿ ಆಪ್ಲೆ ಸೊಂಡ್ಯೆನ್ ತಿ ತೊ ಅಂಬೊ ಸೊಧುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ. ರುಕ್ ಪಡ್ಚ್ಯಾ ರಭಸಾಕ್ ಅಂಬೊ ಪಟೊನ್ ಸರ್ಕಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಏಕಾ ಮಾಟ್ಯಾಂತ್ ಪಡ್ಲೊ. ಹಸ್ತಿಕ್ ಘಾಯ್ ಪಟೊಂಕ್ ಪುಣಿ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಹಿಂ ಆತಾಂ ಮಾಂಕೊಡ್ ಜಾಗೊ ಜಾಲೊ. ಧಾಂವ್ಪೊನ್ ಪಟೊನ್ ತಾಣೆ ತೊ ಅಂಬೊ ಹಾಡ್ಲೊ. ಅಶೆಂ ಪರ್ತುನ್ ತೆ ಆಯ್ಲ್ಲೆ ವಾಟೆನ್ ಆನಿ ಆಯ್ಲ್ಲೆ ಘಾಟೆನ್ ಪಾಟಿಂ ಗೆಲೆ. ಗುಗಿಲಾಗಿಂ ಪಾವ್ತಚ್ ತೆ ಸಾಂಗ್ತಾತ್ "ಸಾಯ್ಬಾ, ಆಮ್ಚೊ ನ್ಯಾಯ್ ತುವೆಂ ಬರೊ ಕರುನ್ ಘಾಯ್ನ್ಲ್ ಕೆಲೊಯ್. ಆಮ್ಚ್ಯಾಂ ದೊಗಾಂ ಪಯ್ಕಿಂಯಿ ಏಕಾಮೆಕಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ಆತಾಂ ಆಮ್ಚೆಂ ಜಗ್ಡೆಂ ಸಂಪ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಆಮಿ ಆಜ್ ಪ್ರಾಸ್ ಚಡ್ ಲಾಗ್ಶಿಲೆ ಇಷ್ಟ್".

ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಹಸ್ತಿನ್ ಆಪ್ಲೆ ಸೊಂಡ್ಯೆನ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಕ್ ಉಕ್ಲುನ್ ಆಪ್ಲೆ ಪಾಟಿರ್ ಬಸಯ್ಲೊ, ಆನಿ ಹಾಸೊನ್ ನಾಚೊನ್ ತೆ ದೊಗ್ಯಿ ಜಣ್ ಆಪ್ಲೆ ವಾಟೆನ್ ಗೆಲೆ.

3 ಕೊಲ್ಯಾಂಕ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಜೆಲಿ

ತ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಕೊಲ್ಯಾಂಚೆಂಚ್ ರಾಜ್. ತಾಂಚಾ ಒಕ್ತ್ಯಾಂನಿ ಪೆಟ್ ಮುನ್ಶ್ಯಾತಿ ಸಗ್ಳ್ಯೊ ಕಂಗಾಲ್ ಜಾಲ್ಯೊ. ಪುಣ್ ಕೊಲ್ಯಾಂಚಿ ವಾಂಕ್ಡಿ ನದರ್ ವಿಶೆಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಂಚೆರ್ ಬಸ್ಲಿ.

ಮಾಂಕೊಡ್ ಬಾಪ್ಡೆ ಗಾಂವಾಂತ್ ಜಾಂವ್ ರಾನಾಂತ ಜಾಂವ್ ಕೊಲ್ಯಾ ಹುಜಿರ್ ತೊಂಡ್ ದಾಕಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ಲಜೆನ್ ಸಲ್ವಲ್ಲೆ. ಭಿಯಾನ್ ಥರ್ಥರ್ತಾಲೆ. ಅಶೆಂಚ್ ಚಲಾತ್ ತರ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಂಚೆಂ ಸತ್ಯಾನಾಸ್ ಜಾತೆಲೆಂ ತೆಂ ಸಕ್ಡಾಂಕ್ ದಿಸೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ.

ಏಕ್ ದೀಸ್ ಥೊಡೆ ಮಾಲಡೆ ಮಾಂಕೊಡ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಬಸ್ಲೆ. ಆಮಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ಭದ್ರತಿ ಪಳೆನಾಂವ್ ತರ್, ಆನಿ ಕೋಣ್ ಭಾಯ್ಲೊ ಜಣ್ ಯೆವ್ನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾಂ ರಾಕ್ತಿತ್‌ಗಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣಿ ಸವಾಲ್ ಕೆಲೆಂ. ಅಸಲಿ ನಾಲಿಸಾಯೆಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ನಿವ್ಹಾರುಂಕ್ ಕೋಣಾಚೊ ಪುಣ್ ಸಲಾಹ್ ಆಸಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತಾಣೆ ಫುಡಯ್ರಾನ್ ಮುಖಾರ್ ಯೆಜಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣಿ ದಾಂಗ್ರೊ ಫೆರಾಯ್ಲೊ.

ತವಳ್ ಏಕ್ಲೊ ತರ್ನೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಮುಖಾರ್ ಸರ್ಲೊ. ಲ್ಹಾನ್ ಪ್ರಾಯೆರೆಚ್ ತೊ ಚಲಾಕೆಚೊ ಮ್ಹಣ್ ನಾಂವಾಡ್ಲೆಲೊ. ತಾಚ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಾತ್ಯೆವ್ನ್

जवाबदारी सगळी म्हजेर सोडल्यार आयच्ये रातिं भितर हांव कोल्यांक मांकोड करतांगी नां तें पळेया म्हणालो तो.

ताची हिकमत कमलो म्हण ते तेणांत तरी, ताची चलाका ओळकातेल्यांनी ताका एक हात खेळोंक सोडिजय म्हण ओस्त केला. मालघडे सगळ ओपले तवळ त्या तरन्या मांकडान सांगलें: आज सांजेर हाव धावोंक लागताना, तुमी सकटांनि, मालघड्यांनि, जांट्यांनि, म्हातान्यांनि, तरणाट्यांनि, ल्हानांनि, भुरग्यांनि, सकडांनि हावें धावंच्ये कुशिक धावाजय. हांव धांव उणी करिन तरी तुमी रावोन या गुंवोन म्हाका पळेनासताना, एक सारके धांवोन वचाजय. तुमी रावश्यात या गुंवोन पळेश्यात तर आमचेर सकटांचेर जब्बोर आकांत येतलो. ह्या तरन्या मांकडाचो सलाह सकटांनि मांडून घेतलो.

त्येच सांजेर तो तर्नो मांकोड गांवच्ये पेंटेंत धांवलो. सगळे ताच्ये पाटल्यान धावले. उप्रांत तो गल्ल्यां गल्ल्यांनि धांवलो. तेवी तशेच धावले थय थावन तो रानाक धांवलो. हेर सगळेयि रानाक गुंवले. अट्टाग रानाक ते पावले तरी धाव मात्र उणी जाली ना.

मांकोड अशेयि पिश्यां भाषेन धांवतात तें पळेवन कोले जागे जाले. मांकडांक बुध शिकवन तांकां तंड करिजय म्हण कोल्यांनि तांची पाट धरली. तशे म्हण्टाना राना मधेगात तो तरनो मांकोड एकदम रावलो. उर्लेले सगळे धांवोन पाश्यार जाले.



ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಸಗ್ಳಿ ವ್ಹಡಿಜೆರ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ರಾತಿಂ ಭಿತರ್ ಹಾಂವ್ ಕೊಲ್ಯಾಂಕ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಕರ್ತಾಂಗಿ ನಾಂ ತೆಂ ಪಳೆಯಾ ವ್ಹಣಾಲೊ ತೊ.

ತಾಚಿ ಹಿಕ್ಮತ್ ಕಸ್ಲಿ ವ್ಹಣ್ ತೆ ನೆಣಾಂತ್ ತರೀ, ತಾಚಿ ಚಲಾಕಿ ಒಳ್ಕ್ ಶೆಲ್ಯಾಂನಿ ತಾಕಾ ಏಕ್ ಹಾತ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ಸೊಡಿಜಯ್ ವ್ಹಣ್ ಒತ್ತಾಯ್ ಕೆಲೊ. ಮಾಲ್ಘಡೆ ಸಗ್ಳೆ ಒಪ್ಲೆ. ತಪಳ್ ತ್ಯಾ ತರ್ನ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾನ್ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ: ಆಜ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ಪೊಂಕ್ ಲಾಗ್ತಾನಾ, ತುಮಿ ಸಕ್ಡ್ಯಾಂನಿ, ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ, ಚೆರ್ಡ್ಯಾಂನಿ, ಮ್ಹಾತಾರ್ಯಾಂನಿ, ತರ್ನ್ಯಾಟ್ಯಾಂನಿ, ಲಾನಾಂನಿ, ಭುರ್ಗ್ಯಾಂನಿ, ಸಕ್ಡ್ಯಾಂನಿ ಹಾವೆಂ ಧಾಂವ್ಚ್ಯೆ ಕುಶಿಕ್ ಧಾಂವಾಜಯ್. ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ ಉಣೆಂ ಕರ್ನ್ ತ[illegible] ರಾವ್ಪೊನ್ ಯಾ ಗುಂವ್ಪೊನ್ ವ್ಹಾಕಾ ಪಳೆನಾಸ್ತಾನಾ ...ಕ್ ... ವಚಾಜಯ್. ತುಮಿ ರಾವ್ಯಾತ್ ಯಾ ಗುಂವ್ಪೊನ್ ಪಳೆಲ್ಯಾತ್ ತರ್ ಆವ್ಯ್ಚ್ಯೆ ಸಕಾಳಿಚೆರ್ ಜಬ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆಕಾಂತ್ ಯೆತಲೊ. ಹ್ಯಾ ತರ್ನ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾ ಚೊ ಸಲಾಹ್ ಸಕ್ಡ್ಯಾಂನಿ ಮಾಂದುನ್ ಘೆತ್ಲೊ.

ತ್ಯೆಚ್ ಸಾಂಜೆರ್ ತೊ ತರ್ನೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಪೆಂಟೆಂತ್ ಧಾಂವ್ಲೊ. ಸಗ್ಳೆ ತಾಚೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಧಾಂವ್ಲೆ. ಉಪ್ರಾಂತ್ ತೊ ಗಲ್ಲ್ಯಾಂ ಗಲ್ಲ್ಯಾಂನಿ ಧಾಂವ್ಲೊ. ತೆವೀ ತಶೆಂಚ್ ಧಾಂವ್ಲೆ. ಘಂಯ್ ಘಾಲ್ನ್ ತೊ ರಾನಾಕ್ ಧಾಂವ್ಲೊ. ಪಾಟ್ ಸಗ್ಳೆಯಿ ರಾನಾಕ್ ಗೆಲೆ. ಆಟ್ಪೊಂಗ್ ರಾನಾಕ್ ತೆ ಪಾವ್ಲೆ ತರೀ ಧಾಂವ್ ಮಾತ್ರ್ ಉಣಿ ಜಾಲಿನಾ.

ಮಾಂಕೊಡ್ ಆಸ್ಲೆಯಿ ಪಿಶ್ಯಾಂ ಭಾಶೆನ್ ಧಾಂವ್ತಾತ್ ತೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಕೊಲೆ ಜಾಗೆ ಜಾಲೆ. ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ಬುದ್ಧ್ ಶಿಕವ್ನ್ ತಾಂಕಾಂ ತೆಂಪ್ ಕರಿಜಯ್ ವ್ಹಣ್ ಕೊಲ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚಿ ಪಾಟ್ ಧರ್ಲಿ. ತಶೆಂ ವ್ಹಣ್ತಾನಾ ರಾನಾ ಮಧೆಗಾತ್ ತೊ ತರ್ನೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಪಿಕ್ಟವ್ ರಾವ್ಲೊ. ಉರ್ಲೆಲೆ ಸಗ್ಳೆ ಧಾಂವ್ಪೊನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೆ.

तितल्यार कोले थंय पावले. ताणि त्या मांकडाची झड्टि सुरु केली. ताच्या सवालांक मांकडाची जाप एकच. मुखल्या रुकार आमच्या रायाची झुजाची धोल उमकाळायल्या. ति राकोंक म्हण हांव हांगासर उबो आसां म्हणालो तो.

कोले आतां उचाबळ जाले. राज्य सगळें आमचें आसताना तुमचो राय कोण आनी ताची झुजाची धोल म्हळ्यार कितें ? तांकां मांकोड सांगा, अरे तुमी म्हज्या रायाची झुजाची धोल आपड्श्यात पुणि तुमकां बरकात जावंचें ना.

ताका कोले रागान पेटोन, अरे तुंरे आमकां भियेवंक कर्तलो ? उठारे, फडारे ति धोल. हाचो राय कोण तो एक पावटीं आमी पळेवन घेवयां, म्हण किञ्काटलो एकलो हरामी कोलो. हाका ओप्पिगी जावन सगळ्या कोल्यांनि कुय्योमुऱ्यो घाल्यो. एकल्याच्ये पाटिर एकलो चडोन ताणि ति फडूनयि जालीच. कोले कितें कर्तात तें पळेवंक तो मांकोड थंय सर उरलो ना. आपले संतान कुळ्ये पाटल्यान धांवोन तो पार जालो.

हेणें योल्यांनि फड्लेली ति धोल बि कांय नहिं. व्हडले जयत धोली तेदि गांजिल मुसांची पुळी ति. – तितल्यार ते मुस रागान दुसपाटोन, कोल्यांच्या नाकाक, तोंडाक, दोळ्यांक सगळ्यान इतल्यान आपले धोमस तोपुन आपलें जिद्द काडूंक लागले. कोल्यांच्यो बोबोच बोबो. वाट दिसानासताना दिक्कापाल धावंच्या त्या कोल्यांची अवस्था पळेवन मजा मारुंक एकलाय मांकोड सयत, थंयसर हाजर नासलो.

4 खावंचें बरेंगी घोळचें बरें ?

एका धन्याक एक रेडो आसलो आनी एक दुकोर आसलो. दुक्राक एक वरेंविगड गुड आसलो. दिस्पोट्टें साताट पावटिं ताका खावंक पियेवंक दीवन ताचो पास करताले. दुक्रान मात्र कसलेंच काम करिजय म्हण नासलें.

हेणें रेड्याक एका सकाळीं इल्लेशें तरन या ताळ्णें पियेवंक दिवन शेताक व्हर्तालो ताचो धनी. थंय दीसभर घोळ्ळ्यार तीन चार पेंडियो तण या भातेण शिवायि ताका दुसरें कायिंच खावंक दीनासलो तो.

ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ಕೊಲೆ ಥಂಯ್ ಪಾವ್ಲೆ. ತಾಣಿ ತ್ಯಾ ತರ್ಲ್ಯಾ, ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಚಿ ಪುಶ್ಚಿ ಸುರು ಕೆಲಿ. ತಾಂಚ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಚಿ ಜಾಪ್ ಏಕುಚ್. ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ರುಕಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ರಾಯಾಚಿ ಝುಂಜಾಚಿ ಧೊಲ್ ಉಮ್ಕಳಾಯ್ಲ್ಯಾ. ತಿ ರಾಕೊಂಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಉಬೊ ಆಸಾಂ ಮ್ಹಣಾಲೊ ತೊ.

ಕೊಲೆ ಆತಾಂ ಉಚಾಂಬಳ್ ಜಾಲೆ. ರಾಜ್ ಸಗ್ಳೆಂ ಆಮ್ಚೆಂ ಆಸ್ತಾನಾ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ರಾಯ್ ಕೋಣ್ ಆನಿ ತಾಚಿ ಝುಂಜಾಚಿ ಧೊಲ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರೀ ಕಿತೆಂ? ತಾಂಕಾಂ ಮಾಂಕೊಡ್ ಸಾಂಗಾ, ಅರೆ ತುಮಿ ಮ್ಹಜಾ ರಾಯಾಚಿ ಝುಂಜಾಚಿ ಧೊಲ್ ಅಪಡಾತ್ ಪುಣಿ ತುಮ್ಕಾಂ ಬರ್ಕಾತ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾ.

ತಾಕಾ ಕೊಲೆ ರಾಗಾನ್ ಪೆಟೊನ್, ಅರೆ ತುಂರೆ ಆಮ್ಕಾಂ ಭಿಯೆಂವ್ಕ್ ಕರ್ತಾಲೊ? ಉತಾರೆ, ಫಡಾರೆ ತಿ ಧೊಲ್. ಹಾಚೊ ರಾಯ್ ಕೋಣ್ ತೊ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಆಮಿ ಪಳೆವ್ನ್ ಘೆವ್ಯಾಂ, ಮ್ಹಣ್ ಕಿಂಕ್ರ್ಯಾಟ್ಲೊ ಏಕ್ಲೊ ಹರಾಮಿ ಕೊಲೊ. ಹಾಕಾ ಒಪ್ಪಿಗಿ ಜಾವ್ನ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಕೊಲ್ಯಾಂನಿ ಕುಯ್ಯೊಮುರ್ಯೊ ಘಾಲ್ಯೊ. ಏಕ್ಲ್ಯಾಚೆ ಪಾಟರ್ ಏಕ್ಲೊ ಚಡೊನ್ ತಾಣಿ ತಿ ಫಡುನೀ ಜಾಲಿಚ್. ಕೊಲೆ ಕಿತೆಂ ಕರ್ತಾತ್ ತೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ತೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಉರ್ಲೊನಾ. ಆಪ್ಲೆ ಸಂತಾನ್ ಕುಳ್ಯೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಧಾಂವ್ರೊನ್ ತೊ ಪಾರ್ ಜಾಲೊ.

ಹೆಣೆ ಕೊಲ್ಯಾಂನಿ ಫಡ್ಲ್ಲಿ ತಿ ಧೊಲ್ ಬಿ ಕಾಂಯ್ ನಹಿಂ. ವ್ಹಡ್ಲೆ ಜಯ್ತ್ ಧೊಲಿ ತೆದಿ ಗಾಂಜಿಲ್ ಮ್ಹಸಾಂಚಿ ಪುಳಿ ತಿ. — ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ತೆ ಮುಸ್ ರಾಗಾನ್ ದುಸ್ಪಾಟೊಸ್, ಕೊಲ್ಯಾಂಚಾ ನಾಕಾಕ್, ತೊಂಡಾಕ್, ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾನ್ ಇತ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲೆ ಧೊಮುಸ್ ತೊಪ್ರುನ್ ಆಪ್ಲೆಂ ಜಿದ್ದ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ. ಕೊಲ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ಬೊಬೊಬೊಚ್ ಬೊಬೊ. ಪಾಟ್ ದಿಸಾನಾಸ್ತಾನಾ ದಿಕ್ಕ್ಯಾಪಾಲ್ ಧಾಂವ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಕೊಲ್ಯಾಂಚಿ ಅವಸ್ಥಾ ಪಳೆವ್ನ್ ಮಜಾ ಮಾರುಂಕ್ ಏಕ್ಲೊಯ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಸಯ್ತ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಹಾಜರ್ ನಾಸ್ಲೊ.

4 ಖಾಂವ್ಚೆಂ ಬರೆಂಗಿ ಘೊಳ್ಚೆಂ ಬರೆಂ?

ಏಕಾ ಧನ್ಯಾಕ್ ಏಕ್ ರೆಡೊ ಆಸ್ಲೊ ಆನಿ ಏಕ್ ದುಕೊರ್ ಆಸ್ಲೊ. ದುಕ್ರಾಕ್ ಏಕ್ ವ್ಹರೆವಿಂಗಡ್ ಗುಣ್ ಆಸ್ಲೊ. ದಿಸ್ಪಟ್ಟೆಂ ಸಾತ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ತಾಕಾ ಖಾಂವ್ಕ್ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ದೀವ್ನ್ ತಾಚೊ ಬರೊ ಪೊಸ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ದುಕ್ರಾನ್ ಮಾತ್ರ್ ಕಸಲೆಂಚ್ ಕಾಮ್ ಕರಿಜಯ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾಸ್ಲೆಂ.

ಹೆಣೆ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಏಕಾ ಸಕಾಳಿಂ ಇಲ್ಲೆಶೆಂ ತರ್ನ್ ಯಾ ತಾಳ್ಗೆಂ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ದೀವ್ನ್ ಶೆತಾಕ್ ವ್ಹರ್ತಾಲೊ ತಾಚೊ ಧನಿ. ಥಂಯ್ ದೀಸ್‌ಭರ್ ಘೊಳ್ಯಾರ್ ತೀನ್ ಚಾರ್ ಪೆಂಡಿಯೊ ತಣ್ ಯಾ ಭಾತೆಣ್ ಶಿವಾಯಿ ತಾಕಾ ದುಸ್ರೆಂ ಕಾಯಿಂಚ್

काळोक जातिच रेडयाक आबडवन ह्याडून गोटयांत बांधतालो आनी पतन तरन ताळण आनी भातेण घालतालो

एक दीस दन्पारा धना काम सोडून जवणाक बसलेल्या वेळार एकलो कोलो रेड्या सशिन आयलो आनी ताणे रेड्याचे कान फुंकले. "इष्टा, कसलो अन्याय व्हो ? तो दुकोर पळे, कोसूंक येना, गाडी वडूंक येना. आनी कसलेंच कुस्कुट काम समेत तो करिना. दीस भर आळसायेन डूंक डूंक करता आनी पोट भर खावन फुगतेच आसा ताच्या आंगाक एक बेत लायनांत, एक मार मारिनांत. तूं सकाळि श्रावन सांज म्हणसर दीसभर घोळ्टाय तरी तुका मात्र दुकरा भाषेन खावंक पियेवंक दीनांत. या विशेव समेत ना. बदलाक तुजे पाटिर पडचे मार जाल्यारय कितले ! असलो अन्याय सोसचो नहि. फाल्यां साकाळि तं उठोंकच उठानाका तुकायि दुकरा भाषेन पोसंदित"

रेडो काल्याच्या सलाहाक ओपलो दुसऱ्या दिसा तो उठलो ना. हाका किते । राग लागला म्हण धन्यान ताका सर्सरित मारुन उठयलो. उप्रात ताचें सदांचें तण ताळणें पियेवंक दीनासतनांच शेताच्या कामाक लायलो काल्याची बध आयकोन आपुण सलवालों म्हळळ त्या रडयाक सारक समजलें त्या दीस ताका तण चरोंक समत त्या धन्यान साडल ना त्य रातिक गाटयात बांधलेले कडेन रडयान चितलें "आपल तर धन्याक उगत सागल्यारच बर जायत"



ಖಾಂವ್ಕ್ ದೀನಾಸ್ಲೊ ತೊ. ಕಾಳೊಕ್ ಜಾತೆಚ್ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಆಂಬ್ಡ್ಯಾವ್ನ್ ಹಾಡುನ್ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಬಾಂಧ್ತಾಲೊ. ಆನಿ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ತಣ್, ತಾಳ್ಣಿಂ ಆನಿ ಭಾತೆಣ್ ಘಾಲ್ತಾಲೊ.

ಏಕ್ ದೀಸ್ ದನ್ಪಾರಾಂ ಧನಿ ಕಾಮ್ ಸೊಡುನ್ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಬಸ್ಲೆಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಏಕ್ಲೊ ಕೊಲೊ ರೆಡ್ಯಾ ಸರ್ಶಿನ್ ಆಯ್ಲೊ ಆನಿ ತಾಣೆ ರೆಡ್ಯಾಚೆ ಕಾನ್ ಫುಂಕ್ಲೆ. "ಇಷ್ಟಾ, ಕಸಲೊ ಅನ್ಯಾಯ್ ಹೊ? ತೊ ದುಕೊರ್ ಪಳೆ, ಗೊಸಾಂಕ್ ಯೆನಾ. ಗಾಡಿ ವಡುಂಕ್ ಯೆನಾ. ಆನಿ ಕಸಲೆಂಚ್ ಕುಸ್ಕುಟ್ ಕಾಮ್ ಸಮೇತ್ ತೊ ಕರಿನಾ. ದೀಸ್ ಭರ್ ಅಳ್ಸಾಯೆನ್ ಡ್ರುಂಕ್ ಡ್ರುಂಕ್ ಕರ್ತಾ ಆನಿ ಪೊಟ್‌ಭರ್ ಖಾವ್ನ್ ಘುಗ್ರೆಚ್ ಆಸಾ. ತಾಚಾ ಆಂಗಾಕ್ ಏಕ್ ಬೆತ್ ಲಾಯ್ನಾಂತ್. ಏಕ್ ಮಾರ್ ಮಾರಿನಾಂತ್. ತುಂ ಸಕಾಳಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಸಾಂಜ್ ಮ್ಹಣಸರ್ ದೀಸ್‌ಭರ್ ಘೊಳ್ಟಾಯ್ ತರೀ ತುಕಾ ಮಾತ್ರ್ ದುಕ್ರಾ ಭಾಷೆನ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ದೀನಾಂತ್. ಯಾ ವಿಶೆವ್ ಸಮೇತ್ ನಾ. ಬದ್ಲಾಕ್ ತುಜೆ ಪಾಟಿಂ ಪಡ್ಚೆ ಮಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್‌ಯಿ ಕಿತ್ಲೆ. ಅಸ್ಲೊ ಅನ್ಯಾಯ್ ಸೊಸ್ಚೊ ನಹಿಂ. ಫಾಲ್ಯಾ ಸಕಾಳಿಂ ತುಂ ಉಠೊಂಕ್‌ಚ್ ಉಠಾನಾಕಾ. ತುಕಾಯಿ ದುಕ್ರಾ ಭಾಷೆನ್ ಪೊಸುಂದಿತ್."

ರೆಡೊ ಕೊಲ್ಯಾಚಾ ಸಲ್ಲಾಹಾಕ್ ಒಪ್ಲೊ. ದುಸ್ರ್ಯಾ ಸಾ ತೊ ಉಠ್ಲೊನಾ. ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಪ್ಲೊ ರೊಗ್ ಲಾಗ್ಲಾ ಮ್ಹಣ್ ಧನ್ಯಾನ್ ತಾಕಾ ಸರ್ಸರಿತ್ ಮಾರುನ್ ಉಠಯ್ಲೊ. ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸದಾಂಚೆಂ ತಣ್ ತಾಳ್ಣಿಂ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ದೀನಾಸ್ತಾ ನಾಂಚ್ ಶೆತಾಚಾ ಕಾಮಾಕ್ ಲಾಯ್ಲೊ. ಕೊಲ್ಯಾಚಿ ಬುದ್ಧ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ಆಪ್ಣ ಸಲ್ವಾಲೊಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ತೆಂ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಸಮ್ಜಲೆಂ. ತ್ಯಾ ದಿಸ್ ತಾಕಾ ತಣ್ ಚರೊಂಕ್ ಸಮೇತ್ ತ್ಯಾ ಧನ್ಯಾನ್ ಸೊಡ್ಲೆಂ ನಾ. ತ್ಯೆ ರಾತಿಕ್ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಬಾಂಧ್ಲೆಲೆ ಕಡೆನ್ ರೆಡ್ಯಾನ್ ಚಿಂತ್ಲೆಂ "ಆಪ್ಲೆಂ ದೂರ್ ಧನ್ಯಾಕ್ ಉಗ್ತೆಂ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್‌ಚ್ ಬರೆಂ ಜಾಯ್ತ್ಂ."

दुसऱ्या दिसा धन्यान ताका सोनाक व्हर्तांना आपलें दूर ताणें धन्याक मांसाक गुड केलें. असलो अन्याय धन्यान कर्तां ताकोंगी व्हड [illegible] रेड्यान सवाल केलो.

ताका धन्यान जाप दिलि. अरे रेड्या, तुका रेडो म्हणचें ह्याच [illegible]. तुका [illegible] पुणि कुय आसाचि! त्या दुकराचो गजाल तुका [illegible] भितर कळटलि. ताचे उत्रांत तूं सांगल्याय खावंचें [illegible] या खावंचें बरें, खंय बरें?

रेडयाक धन्याच्या उत्रांचो अर्थ समजलो ना. कसोय गुजाक हासत्यान कळटलें म्हण सागलां नहिंवे? राकोन पळवया म्हण तो रेडो तंड जालो. मेजन स दिसांनि, फांत्यार, दुकराच्यो मुच्या आयकोन रेडयाक जाग जाली. उठोन पळेता तर दागां [illegible] दुकराक आड घालन चारी पाय बांधून घाल्यात. उप्रांत [illegible] च दोगांनि ताका उकलून भायर माडा मुळाक व्हेलो. थंयसर उजो कत्ले आनी कितें काम चलतालें. थोडयाच मिनुटां भितर दुकरान जाव कातच तसलो बाब मार्लो. बरोच दुकराक मारून सफायि कर्चा कामाक ते दोग जण लागलेले. अशें आपल्या धन्यान त्या दुकराक मारून खावंचो त्या रेड्यान आपल्याच दोळ्यांनि पळेवन जाल्लो.

तितलेंच नांइ आसतां, दोनंच दिसां भितर, त्याच गुडांत, नवेंच एक दुकराचें पिल त्या रेडयाक दिसलें. आतां निज गजाल त्या रेडयाक सारकी समजली. त्या नंतर ताण खावचे विष्यांत जांव घोळचे विष्यांत जांव धन्यालागिं दूर माडलना तसंच त्या काल्याक समेत आपाणालागिं यवंक ताण साडला ना. आपलं दिसपाट्टे काम करुन वळा प्रकार मेळ्ळेलें खावन पियेवन तो सुशेगात रावला.

5 सयलापाची बली

तें एक अट्टांग रान. तात एक वाग. तो म्हातारा जावन आयिल्लो जाल्यारी त्या रानाचो तो राय. दिसाक एक मन्जात आपणाक खावंक जायि. देखून सत प्रकार एके ना एके मन्जातिन आपणाची भुक थाबवंक येजय म्हण ताणें फर्मायलें.

ದುಸ್ರ್ಯಾ ದಿಸಾ ಧನ್ಯಾನ್ ತಾಕಾ ಶೆತಾಕ್ ವ್ಹರ್ತಾನಾ ಆಪ್ಲೆಂ ದೂರ್ ತಾಚೆ ಸಶ್ಯಾಕ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಸುರು ಕೆಲೆಂ. ಅಸಲೊ ಅನ್ಯಾಯ್ ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ಕರ್ಚೊ ಸಾರ್ಕೊ ಗಿ ಮ್ಹಣ್ ರೆಡ್ಯಾನ್ ಸವಾಲ್ ಕೆಲೆಂ.

ತಾಕಾ ಧನ್ಯಾನ್ ಜಾಪ್ ದಿಲಿ. ಅಗೆ ರೆಡ್ಯಾ, ತುಕಾ ರೆಡೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಹ್ಯಾಚ್ ಪಾಸುನ್. ತುಕಾ ಇಲ್ಲಿ ಪುಣಿ ಬುಧ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾ! ತ್ಯಾ ದುಕ್ರಾಚಿ ಗಜಾಲ್ ತುಕಾ ಆಸಾ ವಿಶಾ ಹಾಸ್ಪ್ಯಾ, ಭಿತರ್ ಕಳ್ಳಿಲಿ. ತಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತುಂ ಸಾಂಗ್ ಕೊಣಾಯ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಬರೆಂಗಿ ವಾ ಘೊಳ್ಚೆಂ ಬರೆಂ, ಖಂಚೆಂ ಬರೆಂ?

ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಧನ್ಯಾಚಾ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಅರ್ಥ್ ಸಮ್ಜಲೊ ನಾ. ಕಸಲಿಯಿ ಗಜಾಲ್ ಸಾಮ್ಗ್ರೆನ್ ಕಳ್ಳಿಲಿ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ನಹಿಂವೆ? ರಾಕೊನ್ ಪಳೆವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ರೆಡೊ ತಂಡ್ ಜಾಲೊ. ಮೆಜುನ್ ಸ ದಿಸಾಂನಿ, ಫಾಂತ್ಯಾರ್, ದುಕ್ರಾಚ್ಯೊ ಮುರ್ಯೊ ಆಯ್ಕ್ಯಾನ್ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಜಾಗ್ ಜಾಲಿ. ಉಠೊನ್ ಪಳೆತಾ ತರ್ ದೊಗಾಂ ಜಣಾಂನಿ ದುಕ್ರಾಕ್ ಆಡ್ ಘಾಲುನ್ ಚಾರೀ ಪಾಯ್ ಬಾಂಧುನ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್. ಉಪ್ರಾಂತ್ ತ್ಯಾಚ್ ದೊಗಾಂನಿ ತಾಕಾ ಉಕ್ಲುನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಮಾಸಾ ಮುಳಾಕ್ ವ್ಹೆಲೊ. ಧಂಯ್ಸುರ್ ಉಬೊ ಕೆಲ್ಲೊ ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಕಾಮ್ ಚಲ್ತಾಲೆಂ. ಘೊಡ್ಯಾಚ್ ಮಿನುಟಾಂ ಭಿತರ್ ದುಕ್ರಾನ್ ಜೀವ್ ಕಾತರ್ಚೆ ತಸಲಿ ಬೊಬ್ ಮಾರ್ಲಿ. ಖರೊಚ್ ದುಕ್ರಾಕ್ ಮಾರುನ್ ಸಫಾಯ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಕಾಮಾಕ್ ತೆ ದೊಗ್ ಜಣ್ ಲಾಗ್ಲೆ. ಅಶೆಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಧನ್ಯಾನ್ ತ್ಯಾ ದುಕ್ರಾಕ್ ಮಾರುನ್ ಖಾಂವ್ಚೆಂ ತ್ಯಾ ರೆಡ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾಚ್ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಪಳೆವ್ನ್ ಜಾಲೆಂ.

ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ, ದೊನ್ಂಚ್ ದಿಸಾಂ ಭಿತರ್, ತ್ಯಾಚ್ ಗುಡಾಂತ್ ನಪೆಂಚ್ ಏಕ್ ದುಕ್ರಾಚೆಂ ಪಿಲ್ ತ್ಯಾ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ದಿಸ್ಲೆಂ. ಆತಾಂ ಸಗ್ಳಿ ಗಜಾಲ್ ತ್ಯಾ ರೆಡ್ಯಾಕ್ ಸಾರ್ಕಿ ಸಮ್ಜ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ನಂತರ್ ತಾಚೆ ಖಾಂವ್ಚೆಂ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ ಜಾಂವ್ ಘೊಳ್ಚೆ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ ಜಾಂವ್ ಧನ್ಯಾಲಾಗಿಂ ದೂರ್ ಮಾಂಡ್ಲೆಂ ನಾ. ತಸೊಚ್ ತ್ಯಾ ಕೊಲ್ಯಾಕ್ ಸವೆಂತ್ ಆಪ್ಣಾಲಾಗಿಂ ಯೆಂವ್ಕ್ ತಾಣೆ ಸೋಡ್ಲೊ ನಾ. ಆಪ್ಲೆಂ ದಿಸ್ಪೊಟ್ಚೆಂ ಕಾಮ್ ಕರುನ್ ವೆಳಾ ಪ್ರಕಾರ್ ಮೆಳ್ಳಿಲೆಂ ಖಾವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ತೊ ಸುಶೆಗಾತ್ ರಾವ್ಲೊ.

5 ಸಯ್ಯಾ ಪಾಚಿ ಬಲಿ

ತೆಂ ಏಕ್ ಅಟ್ಟಾಂಗ್ ರಾನ್. ತಾಂತು ಏಕ್ ವಾಗ್. ತೊ ಮಾತಾರೊ ಜಾವ್ನ್ ಆಯಿಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರೀ ತ್ಯಾ ರಾನಾಚೊ ತೊ ರಾಯ್. ದಿಸಾಕ್ ಏಕ್ ಮನ್ಶ್ಯಾತ್ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್. ದೆಕುನ್ ಸರ್ತಿ ಪ್ರಕಾರ್ ಏಕೆ ನಾ ಏಕೆ ಮನ್ಶ್ಯಾತಿನ್ ಆಪ್ಣಾಚಿ ಭುಕ್ ಥಾಂಬಂವ್ಕ್ ಯೆಜಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆ ಥರಾಯ್ಲೆಂ.

म्हातारो तरी वागाचें बळ उणें जावंक नासलें. अशें सगळे ताका भियेले. ह्या मारेकार वागाच्या तोंडांतले वांचोंक कांय पुणि उपायि आसागाय म्हण सोधूंक लागले कसलिच वाट दिसानास्ताना ह्या विशि तर्क करुंक एक सभा जमयली. वागा शिवायि उरुल्यो सगळ्यो मन्जाती थंय जमल्यो.

सभेर जायत्या मन्जातिचीं भाषणां जालीं. आखेरिक कापसा सार्कों सोसो उठलो. आपुण असकत आनी कामाक पडानासललो तरी, आपणाक पयली सर्ति दीजय म्हण मागालागलो. जिकल्यार सगळ्यांक सुख. सलवाल्यार आपणाचो मात्र जीव वेतलो म्हण ताणें तर्क मांडलें.

सोसो आपलो गुट फडिनां तें पळेवन सबार मन्जाति ताचेर तापल्यो. जाल्यारी सोस्याक आपल्याच जिवाच्या अपायान एक हात दाकवंक सोडल्यार नष्ट ना म्हण लेखून सभेन सोस्याचें मागणें पसंद केलें. तवळ सोस्यान वागालागिं वचोन अशें सांगलें. "राया, राया, सगळयां प्रास पयली सर्ती म्हजी म्हण केल्या. पुण तूं आसाय येदो व्हडलो, गंबीर, बळादिक. तुज्ये बोण पळेतानांच तुजी सोभायि पारकुंव्येत. तुज्या रायपणाव हांव कांयि फावो त खाण जावंचो नहिं. तरी पुण ह्यें खाण तुका अधिक रुचिचें जायजय म्हण म्हजि आशा. आज सांजेर असकया जाग्यार हांव उजो करतां आनी म्हाकाच हांव भाजूंक





ವ್ಹಾತಾರೊ ತರೀ, ವಾಗಾಚೆಂ ಬಳ್ ಉಣೆ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಸ್ಲೆಂ. ಅಶೆಂ ಸಗ್ಳೆ ತಾಕಾ ಭಿಯೆಲೆ. ಹ್ಯಾ ಮಾರೆಕಾರ್ ವಾಗಾಚಾ ತೊಂಡಾತ್ಲೆ ವಾಂಚೊಂಕ್ ಕಾಂಯಿ ಪ್ರಣಿ ಉಪಾಯಿ ಆಸಾಗಾಯ್ ವ್ಹಣ್ ಸೊಧುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ ಕಸಲಿಚ್ ವಾಟ್ ದಿಸಾನಾಸ್ತಾನಾ ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ತರ್ಕ್ ಕರುಂಕ್ ಏಕ್ ಸಭಾ ಜಮಯ್ಲಿ. ವಾಗಾ ಶಿವಾಯಿ ಉರುಲ್ಲ್ಯಾ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಮುನ್ಜಾತಿ ಥಂಯ್ ಜಮ್ಲ್ಯಾ.

ಸಭೆರ್ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ಮುನ್ಜಾತಿಂಚಿಂ ಭಾಷಣಾಂ ಜಾಲಿಂ. ಅಖೇರಿಕ್ ಕಾಪ್ಲಾ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ಸೊಸೊ ಉಠ್ಲೊ. ಆಪ್ಣ್ ಅಶಕ್ತ್ ಆನಿ ಲಾಮಾಕ್ ಪಡಾನಾಸ್ಲಲೊ ತರೀ, ಅಪ್ಣಾಕ್ ಪಯ್ಲಿ ಸರ್ತಿ ದೀಜಯ್ ವ್ಹಣ್ ಮಾಗಾಲಾಗ್ಲೊ. ಜಿಕ್ಲ್ಯಾರ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ಸುಖ್. ಸಲ್ವಲ್ಯಾರ್ ಆಪ್ಣಾಚೊ ಮಾತ್ರ್ ಜೀವ್ ವೆತಲೊ ವ್ಹಣ್ ತಾಣೆ ತರ್ಕ್ ಮಾಂಡ್ಲೆಂ.

ಸೊಸೊ ಆಪ್ಲೊ ಗುಟ್ ಘಡಿನಾಂ ತೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಸಭಾರ್ ಮುನ್ಜಾತಿ [illegible] ತಾಪ್ಲ್ಯೊ. ಜಾಲ್ಯಾರೀ ಸೊಸ್ಯಾಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾಚ್ ಜೀವಾಚಾ ಅಪಾಯಾನ್ ಏಕ್ ಹಾತ್ ದಾಕಂವ್ಕ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ನಷ್ಟ್ ನಾ ವ್ಹಣ್ ಲೆಖುನ್ ಸಭೆನ್ ಸೊಸ್ಯಾಚೆಂ ಮಾಗ್ಣೆ ಪಸಂದ್ ಕೆಲೆಂ. ತವಳ್ ಸೊಸ್ಯಾನ್ ವಾಗಾಲಾಗಿಂ ವಚೊನ್ ಅಶೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ. "ರಾಯಾ ರಾಯಾ, ಸಗ್ಳ್ಯಾಂ ಪ್ರಾಸ್ ಪಯ್ಲಿ ಸರ್ತಿ ವ್ಹಜಿ ವ್ಹಣ್ ಕೆಲ್ಯಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ಆಸಾಯ್ ಯೆದೊ ವ್ಹಡ್ಲೊ, ಗಂಭೀರ್, ಬಳಾದಿಕ್. ತುಜೆ ಬೊಣ್ ಪಳೆತಾನಾಂಚ್ ತುಜಿ ಸೊಭಾಯ್ ಪಾರ್ಕುಂವ್ಯೆತ್. ತುಜಾ ರಾಯ್ ಪಣಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಕಾಂಯಿ ಘಾವೊತೆಂ ಖಾಣ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯೆ ನಹಿಂ. ತರಿಪುಣ್ ಹ್ಯಂ ಖಾಣ್ ತುಕಾ ಆಧಿಕ್ ರುಚಿಚೆಂ ಜಾಯ್ಜಯ್ ವ್ಹಣ್ ವ್ಹಜಿ ಆಶಾ. ಆಜ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಅಮ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್ ಉಜೊ ಕರ್ತಾಂ ಆನಿ ವ್ಹಾಕಾಚ್ ಹಾಂವ್ ಭಾಜುಂಕ್

लागतां. सार्को भाजलेल्या पारा तुका कळयतां. तवळ तूं म्हाका हुनार हुन खावन सोड.

वागाक सोस्याचो सयलाप बरो रुचलो. पयल्या दिसा व्हो ल्हान सोसो पोट भरानासलें खाण. उप्रांत व्हड मन्जार्ता मेळटल्यो तें खंडित म्हण चितून वागान मिटियो मारल्यो, आनी वाग सोस्याच्या सलाहाक आपलो.

सोस्यान आपल्या मनाक जोक्तो जागो सोधलो. पलतडि एक गूंड जिरि. तांतूं वयर थावन सकयल पड्लेल्याक मात्र बिलकूल वांच ना. सांज जाताना त्यें जिरयेच्या वयल्या कड्शार सोस्यान उजा केलो. रायान गरोज मारली. भाजलोवेरे? ना राया, इल्लो उरला म्हण सोस्याची जाप. अशें पर्तुन पर्तुन सांगतां सांगतां सोस्यान मेटान मेट उजो कडशाच्ये देगेक व्हेलो. अंगालाग्पि वागाक ह्यें गमलें ना. सैरण चूकोन तो गरोज मारुंकच पडलो. अखेरिक सोस्याच्ये जागिक समेत राकानास्ताना, रायान उड्कि मार्ली उजो लागोन तो हुलपालो. हेणे तेणे पुसतां म्हण्टाना वाग निसरोन कडशार थावन जिरियेक पडलो. पड्टास्ताना त्या कडशाक लागोन असच्या एका रुकाची बारीक फंटि दांतानी चाबोन धरून उर्लो, अरध्यार उमकाळुंक लागलो.

ह्यें पळेल्लो सोसो, आपलो उपायि निर्फोळ जायनायें म्हळ्ळ्या इराद्यान पर्तून रायाक सयलाप करुंक लागलो. आळे राया, ह्या उजाच्या उज्वाडाक तूं सोभताय म्हळ्यार्दा कितलो पळे, म्हण लो. वागाक रागान संताप. आपुण केदनां तरी सोभित आसचो. ह्या किर्कोळ उजाच्या उज्वाडांत मात्र ह्या सोस्याक सोभित दिसलोंगी? राव ताका, म्हण गरोज मारुंक रायान तोंड उगडलें. तितल्यार चाबोन धर्लेली फांटी चुकली. आनी वाग त्ये जिरिये तळाक शेवटोन कलास जालो.

सोस्यान धांवोन वचोन सगळ्या मन्जर्तिक आपवन हाडून त्या वागाचें मडें दाकयलें. सोसाच्या सयलापाक बली जावन तांचो मारेकार दुसमान पडाव जाल्लो.

ಲಾಗ್ತ್ಯಾಂ. ಸಾರ್ಕ್ಯೊ ಭಾಜ್ಲೆಲ್ಯಾ ಪಾರಾ ತುಕಾ ಕೆಳಯ್ತ್ಯಾಂ. ತವಳ್ ತುಂ ಪ್ಯಾಕಾ ಹುಸಾರ್ ಹಾಂಸ್ ಖಾವ್ನ್ ಸೊಡ್."

ವಾಗಾಕ್ ಸೊಸ್ಯಾಚೊ ಸಯ್ಲ್ಲಾಪ್ ಬರೊ ರುಚ್ಲೊ. ಪಯ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾ ವ್ಹೊಲ್ಯಾನ್ ಸೊಸೊ ಪೊಟ್ ಭರಾನಾಸ್ಲ್ಲಿಂ ಖಾಣ್. ಉಪ್ರಾಂತ್ ವ್ಹಡ್ ಮನ್ಶ್ಯಾತಿ ಮೆಳ್ಚ್ಯೊ ತೆಂ ಖಂಡಿತ್ ವ್ಹಡ್ ಚಿಂತುನ್ ವಾಗಾನ್ ಮಿಟ್ಯೊ ಮಾರ್ಲ್ಯೊ. ಆನಿ ವಾಗ್ ಸೊಸ್ಯಾಚಾ ಸಲ್ಲಾಹಾಕ್ ಒಪ್ಲೊ.

ಸೊಸ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮನಾಕ್ ಜೊಕ್ತ್ಯೊ ಜಾಗೊ ಸೊಧ್ಲೊ. ಪಲ್ತಡಿ ಏಕ್ ಗುಂಡ್ ಜಿರಿ. ತಾಂತುಂ ವಯ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ಪಡ್ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ವಾಂಚ್ ನಾ. ಸಾಂಜ್ ಜಾತಾನಾ ತ್ಯೆ ಜಿರೆಚಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಕಡ್ಯಾರ್ ಸೊಸ್ಯಾನ್ ಉಜೊ ಕೆಲೊ. ರಾಯಾನ್ ಗರೊಜ್ ಮಾರ್ಲಿ. ಭಾಜ್ಲ್ಲೆ ಪರೆ? ನಾ ರಾಯಾ ಇಲ್ಲ್ಲೊ ಉರ್ಲ್ಲಾ ವ್ಹಯ್ಣ್ ಸೊಸ್ಯಾಚಿ ಜಾಪ್. ಅಶೆಂ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಸಾಂಗ್ತ್ಯಾಂ ಸಾಂಗ್ತ್ಯಾಂ ಸೊಸ್ಯಾನ್ ಮೆಟಾನ್ ಮೆಟ್ ಉಜೊ ಕಡ್ಯಾಚೆ ದೆಗೆಕ್ ವ್ಹೆಲೊ. ಅಂಗಾ ಭಾಪ್ಟಿ ವಾಗಾಕ್ ಹ್ಯೆಂ ಗಮ್ಲೆಂನಾ. ಸಯ್ರಣ್ ಚುಕೊನ್ ತೊ ಗರೊಜ್ ಮಾರ್ಲುಂಕ್‌ಚ್ ಪಡ್ಲೊ. ಆಖೆರಿಕ್ ಸೊಸ್ಯಾಚೆ ಜಾಪಿಕ್ ಸಮೆತ್ ರಾಕಾನಾಸ್ತಾನಾ, ರಾಯಾನ್ ಉಡ್ಕಿ ಮಾರ್ಲಿ. ಉಜೊ ಲಾಗೊನ್ ತೊ ಹುಲ್ಪಾಲೊ. ಹೆಣೆ ತೆಣೆ ಪ್ರಸ್ತಾಂ ಮಣ್ಣ್ಯಾನಾ ವಾಗ್ ನಿಸ್ರೊನ್ ಕಡ್ಯಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಜಿರಿಯೆಕ್ ಪಡ್ಲೊ. ಪಡ್ಟಾಸ್ತಾನಾ ತ್ಯಾ ಕಡ್ಯಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ ಆಸ್ಚಿ ಏಕ್ ರುಕಾಚಿ ಬಾರಿಕ್ ಫಾಂಟಿ ದಾಂತಾನಿ ಚಾಬೊನ್ ಧರುನ್ ಉರ್ಲೊ, ಅಧ್ಯಾರ್ ಉಮ್ಯಾಳುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಹ್ಯೆಂ ಪಳೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸೊಸೊ, ಆಪ್ಲೊ ಉಪಾಯಿ ನಿಫೊಳ್ ಜಾಯ್ನಾಯೆ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಇರಾದ್ಯಾನ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ರಾಯಾಕ್ ಸಯ್ಲ್ಲಾಪ್ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಅಳೆ ರಾಯಾ, ಹ್ಯಾ ಉಜಾಚಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ತುಂ ಸೊಭ್ತಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರೀ ಕಿತ್ಲೊ ಪಳೆ ಶಿವ್ಹಣಾಲೊ. ವಾಗಾಕ್ ರಾಗಾನ್ ಸಂತಾಪ್. ಆಪ್ಣ್ ಕೆದ್ನಾಂ ತರೀ ಸೊಭೀತ್ ಆಸ್ಚೊ. ಹ್ಯಾ ಕಿರ್ಣ್ಯಾಳ್ ಉಜಾಚಾ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ಮಾತ್ರ್ ಹ್ಯಾ ಸೊಸ್ಯಾಕ್ ಸೊಭಿತ್ ದಿಸ್ಲೊಂಗಿ? ರಾಪ್ ತಾಕಾ ವ್ಹಯ್ಣ್ ಗರೊಜ್ ಮಾರುಂಕ್ ರಾಯಾನ್ ತೊಂಡ್ ಉಗಡ್ಲೆಂ. ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ಚಾಬೊನ್ ಧರ್ಲ್ಲಿ ಫಾಂಟಿ ಚುಕ್ಲಿ, ಆನಿ ವಾಗ್ ತ್ಯೆ ಜಿರಿಯೆ ತಳಾಕ್ ಶಿವ್ರೊನ್ ಕಲಾಸ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಸೊಸ್ಯಾನ್ ಧಾಂವ್ರೊನ್ ವಚೊನ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾತಿಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ಹಾಡುನ್ ತ್ಯಾ ವಾಗಾಚೆಂ ಮಡೆಂ ದಾಕಯ್ಲೆಂ. ಸೊಸ್ಯಾಚಾ ಸಯ್ಲ್ಲಾಪಾಕ್ ಒಲಿ ಜಾವ್ನ್ ತಾಂಚೊ ಮಾರೆಕಾರ್ ದುಸ್ಮಾನ್ ಪಡಾವ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

६ मोत्यांचो सर



त्या गावंचो राणि सोभायेंक नांवाडलेली. तितलीच ति साधी. भांगारा शिंगाराचां तिका पिसायि नासली. फकत एक मोत्यांचो सर मात्र ति घालताली.


त्या रावळेराच्या मुखार व्हडले जयत आंव्या रुक आसले. तांतू दिसरात मांकडांचो खेळ जाताली. रायाक तांची धोस सोसूंक जायना स्ताना त्या मांकडांक मार्‍यां म्हण जालें. पुण ल्हान व्हड मांकोड थंय सर खेळचे पळेवन राणियेचें काळिज मोवाळलें. देखून तिणे त्या मांकडांक मारचें सोड, तांकां थंयचे धांवडावंक समेत सोडलेनांत.

राणियेच्ये सळ्गंन रुकावयले मांकोड रावळेरा भितर येवंक लागले. तिच्या खासगी कुडाक समेत ते रिगले. एकलो बायलो मांकोड पिलाक हरद्यार वेंगवन भायर भितर येवन वचोंक लागलो. एक दिस राणियेन न्हावंक वेताना आपला मोलादिक मोत्यांचो सर काडून दवलों. ति पाटिं येताना तो सर थंयचो नपयच जाल्लो. तिका दुसर्‍या कसल्याच शिंगाराचेर मन नासलें तरी व्हो सर नास्ताना मात्र तिक तड्वुंक जालेंच ना.

सगळ्या रावळेराचो विचार जालो. कोण्ंक तो चोरुंकना म्हण सक्कड सांगालागले. राणि अधिक बेजार जाली. तिचें नोंड बावडें जालें. आनी तिचो गळो रितो रितो दिसतालो.

6 ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್





ತ್ಯಾ ಗಾಂವ್ಚಿ ರಾಣಿ ಸೊಭಾಯೆಕ್ ನಾಂವಾಡ್ಲೆಲಿ. ತಿಚಿ ಚ್ ತಿ ಸಾಧಿ. ಭಾಂಗಾರಾ ಶಿಂಗಾರಾಚಿ ತಿಕಾ ಪಿಸಾಯಿ ನಾತ್ಲಿ. ಫಕತ್ ಏಕ್ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್ ಮಾತ್ರ್ ತಿ ಘಾಲ್ತಾಲಿ.

ತ್ಯಾ ರಾವ್ಳೆರಾಚಾ ಮುಖಾರ್ ವ್ಹಡ್ಲೆ ಜಯ್ತ್ ಆಂಬ್ಯಾ ರುಕ್ ಆಸ್ಲೆ. ತಾಂತುಂ ದಿಸ್‌ರಾತ್ ಮಾಂಕ್ಡಾಂಚೊ ಖೆಳ್ ಜಾತಾಲೊ. ರಾಯಾಕ್ ತಾಂಚಿ ಧೊಸ್ ಸೊಸುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತ್ನಾ ತ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾಂಕ್ ಮಾರ್ಚ್ಯಾಂ ವ್ಹಿಣ್ ಜಾಲೆಂ. ಪುಣ್ ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹಡ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಘಂಯ್ಸಾರ್ ಖೆಳ್ಚಿ ಪಳೆವ್ನ್ ರಾಣ್ಯೆಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಮೊವಾಳ್ಳೆಲೆಂ. ದೆಕುನ್ ತಿಣೆ ತ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾಂಕ್ ಮಾರ್ಚೆಂ ಸೊಡ್ತ್, ತಾಂಕಾಂ ಘಂಯ್ಚಿ ಧಾಂವ್ಡಾಂಕ್ ಸಮೇತ್ ಸೊಡ್ಲೆ ನಾಂತ್.

ರಾಣ್ಯೆಚ್ಯೆ ಸಳ್ಗಿನ್ ರುಕಾವಯ್ಲೆ ಮಾಂಕೊಡ್ ರಾವ್ಳೆರಾ ಭಿತರ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ. ತಿಚಾ ಖಾಶ್ಗಿ ಕುಡಾಕ್ ಸಮೇತ್ ತೆ ರಿಗ್ಲೆ. ಏಕೊ ಬಾಯ್ಲೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಪಿಲಾಕ್ ಪರ್ಡ್ಯಾಕ್ ಪೆಂಗವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ಯೆವ್ನ್ ವಚೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಏಕ್ ದೀಸ್ ರಾಣ್ಯೆನ್ ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾನಾ ಆಪ್ಲೊ ಮೊಲಾದಿಕ್ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್ ಕಾಡುನ್ ದವರ್ಲೊ. ತಿ ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ತೊ ಸರ್ ಘಂಯ್ಲೊ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ತಿಕಾ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಕಸಲ್ಯಾಚ್ ಶಿಂಗಾರಾಚೆರ್ ಮನ್ ನಾಸ್ಲೆಂ ತರೀ ಹ್ಯಾ ಸರ್ ನಾಸ್ತ್ನಾ ಮಾತ್ರ್ ತಿಕಾ ತಡ್ವ್ಯಾಂಕ್ ಜಾಲೆಂಚ್‌ನಾ.

ಸಗ್ಳ್ಯಾ ರಾವ್ಳೆರಾಚೆ ಶಿಬಂದೆಚೊ ವಿಚಾರ್ ಕರುನ್ ಜಾಲೊ. ಕೊಣೆಂಚ್ ತೊ ಚೊರುಂಕ್ನಾ ವ್ಹಿಣ್ ಸಕ್ಡ್ ಸಾಂಗಾಲಾಗ್ಲೆ. ರಾಣಿ ಅಧಿಕ್ ಬೆಜಾರ್ ಜಾಲಿ. ತಿಚೆಂ ತೊಂಡ್ ಬಾಪ್ಡೆಂ ಜಾಲೆಂ. ಆನಿ ತಿಚೊ ಗಳೊ ರಿತೊ ರಿತೊ ದಿಸ್ತಾಲೊ.

ह्यें पळेल्लो राय आपुणच खंतिष्ट जालो. ताणे दुसरे खंचे सर या नग हाडून दिल्यारी ते खंचेच राण्येक पसंद जालेनांत. तो मोत्यांचो सर तिका तिच्या माऊघड्यां थावन आयिल्लो आनी ताचेर तिका आसल्लो तो अभिमान सुलभायेन हेरां वस्तुंचेर बदल्चो तसलो नहिं.

आपले राण्येक खुशाल करची वाट दिसानास्ताना रायान आपल्या मंत्रिची सभा जमयली. एकेकल्यान एकेक सलाह दिलो. एकल्यान एक सांगताना खिणा भितर सगळे मेळोन तो उपायि पोकळ बेफायद्याचो म्हण दाकवन दिताले. तवळ कसलिच वाट दिसली ना.

तशें म्हण्टाना रायाचो हास्यगार उठलो आनी आपुण एक उपायि करतां. देखून म्हाका शेंभर बेगडिच्या मणियांचे सर दिवयजय म्हणालो. शंभर नहिं, हजार नहिं, करोडच बेगडिच्या मणियांचे सर घाल्यार कांय एक आपुट मोत्यांचो सर जावंचो आसावे म्हण मंत्रि सगळे ताचीं नकलां करुक लागले. जायत आतां हास्चो वेळ तुमचो. मागीर हांव हासताना तुमी कितें कर्तेल्यात तें पळेवयां म्हणालो तांकां तो हास्यगार. रायाक मात्र गेल्यार बेगडिच्या मणियांचे चार कास वेतेले. मेळ्ळ्यार मोत्यांचो सरच मेळोन राणी खुशाल धाक्तोस जातेली नहिंवे म्हण दिसलें. ताणे त्या हास्यगारान मागलेले सर दिवंक फर्मायलें.

दुसरो दोस उदेताना राय भायर पळेता. रावळेरा मुखार शेंभर बेगडिचे सर उमकाळटात. अरे, हास्यगाराक मिहनत करुंक सर दिवयल्यार, ताणे म्हाकाच मांकोड करुक धरलां नहिंगी म्हण राय ताचेर तापलो. पुण कसलेंच फर्माण दिवंचे भितर हास्यगार थंय येवन पावलोच. ताच्या गळयांती बेगडिचो सर आसलो. ताणे मात्र मांकडाचो वेस घाल्लो.

थंय पावललोच तो मांकडा भाषेन आवाज करून खेळोंक लागलो. आंब्या रुका वयले मांकोड ताकाच पळेवंक लागले. तवळ थंय उमकाळ्चो एकेकच बेगडिचो सर ताणे मांकडां मुखार उडयलो. ताच्या गळ्यांत सर पळवन मांकडांनि ताणे उडयलेले सर विंचले आनी आपापल्या गळ्याक घाले.

ಪ್ಯೆಂ ಪಳಿಲ್ಲೊ ರಾಯ್ ಆಪ್ರುಣ್‌ಚ್ ಖಂತಿಷ್ಟ್ ಜಾಲೊ. ತಾಣೆ ದುಸ್ರೆ ಖಂಚೆ ಸರ್ ಯಾ ನಗ್ ಹಾಡುನ್ ದಿಲ್ಯಾರೀ ತೆ ಖಂಚೆಚ್ ರಾಣ್ಯೆಕ್ ಪಸಂದ್ ಜಾಲೆನಾಂತ್. ತೊ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್ ತಿಕಾ ತಿಚಾ ಮಾಂಯ್ಪುಡ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಆನಿ ತಾಚೆರ್ ತಿಕಾ ಆಸಲ್ಲೊ ತೊ ಅಭಿಮಾನ್ ಸಂಲಭಾಯೆಂಸ್ ಹೆರಾಂ ವಸ್ತುಂಚೆರ್ ಬದಲ್ಲ್ಯೊ ತಸಲೊ ನಹಿಂ.

ಆಪ್ಲೆ ರಾಣ್ಯೆಕ್ ಖುಶಾಲ್ ಕರ್ಚಿ ವಾಟ್ ದಿಸಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮಂತ್ರಿಂಚಿ ಸಭಾ ಜಮಯ್ಲಿ. ಏಕೆಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕೆಕ್ ಸಲಾಹ್ ದಿಲೊ. ಏಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾನಾ ಖಿಣಾ ಭಿತರ್ ಸಗ್ಳೆ ಮೆಳೊನ್ ತೊ ಉಪಾಯಿ ಪ್ರೊಕಳ್ ಬೆಥಾಯ್ದ್ಯಾಚೊ ಮ್ಹುಣ್ ದಾಕವ್ನ್ ದಿತಾಲೆ. ತವಳ್ ಕಸ್ಲಿಚ್ ವಾಟ್ ದಿಸ್ಲಿನಾ.

ತಶೆಂ ಮ್ಹುಣ್ಟಾನಾ ರಾಯಾಚೊ ಹಾಸ್ಯಗಾರ್ ಉಠ್ಲೊ ಆನಿ ಆಪುಣ್ ಏಕ್ ಉಪಾಯಿ ಕರ್ತಾಂ. ದೆಕುನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಶೆಂಭರ್ ಬೆಗ್ಡ್ಯಾ ಮಣೆಯಾಂಚೊ ಸರ್ ದಿವಯ್ಜಾಯ್ ಮ್ಹುಣಾಲೊ. ಶೆಂಭರ್ ನಹಿಂ ಹಜಾರ್ ನಹಿಂ, ಕರೊಡ್‌ಚ್ ಬೆಗ್ಡಿಚಾ ಮಣಿಯಾಂಚೆ ಸರ್ ಘಾಲ್ಯಾರ್ ಕಾಂಯಿ ಏಕ್ ಅಪ್ರುಟ್ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್ ಜಾಂವ್ನ್ಯೊ ಆಸಾವೆ ಮ್ಹುಣ್ ಮಂತ್ರಿ ಸಗ್ಳೆ ತಾಚೆಂ ನಕ್ಲಾಂ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ. ಜಾಯ್ತ್ ಆತಾಂ ಹಾಸ್ಯೊ ವೆಳ್ ತುವ್ಯೊ. ಮಾಗಿರ್ ಹಾಂವ್ ಹಾಸ್ತಾನಾ ತುಮಿ ಕಿತೆಂ ಕರ್ತೆ ಲ್ಯಾತ್ ತೆಂ ಪಳೆವ್ಯಾಂ ಮ್ಹುಣಾಲೊ ತಾಂಕಾಂ ತೊ ಹಾಸ್ಯಗಾರ್. ರಾಯಾಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಬೆಗ್ಡಿಚಾ ಮಣಿಯಾಂಚೆ ಚಾರ್ ಕಾಸ್ ವೆತೆಲೆ. ಮೆಳ್ಯಾರ್ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್‌ಚ್ ಮೆಳೊನ್ ರಾಣಿ ಖುಶಾಲ್ ಧಾದೊಸ್ ಜಾತೆಲಿ ನಹಿಂವೆ ಮ್ಹುಣ್ ದಿಸ್ಲೆಂ. ತಾಣೆ ತ್ಯಾ ಹಾಸ್ಯಗಾರಾನ್ ಮಾಗ್ಲೆಲೆ ಸರ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಫಗ್ಮಾಯ್ಲೆಂ.

ದುಸ್ರೊ ದೀಸ್ ಉದೆತಾನಾ ರಾಯ್ ಭಾಯ್ರ್ ಪೆತಾ. ರಾಪ್ಯೆರಾ ಮುಖಾರ್ ಶೆಂಭರ್ ಬೆಗ್ಡಿಚೆ ಸರ್ ಉಮ್ಯಾಳ್ಯಾತ್. ಅರೆ, ಹಾಸ್ಯಗಾರಾಕ್ ವಿನ್ತ್ ಕರುಂಕ್ ಸರ್ ದಿವಯ್ಲ್ಯಾರ್, ತಾಣೆ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ಕರುಂಕ್ ಧರ್ಲಾಂ ನಹಿಂಗಿ ಮ್ಹುಣ್ ರಾಯ್ ತಾಚೆರ್ ತಾಪ್ಲೊ. ಪುಣ್ ಕಸಲೆಂಚ್ ಫರ್ಮಾನ್ ದಿಂವ್ಚೆ ಭಿತರ್ ಹಾಸ್ಯಗಾರ್ ಥಂಯ್ ಯೆವ್ನ್ ಪಾವ್ಲೊಚ್. ತಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಂತೀ ಬೆಗ್ಡಿಚೊ ಸರ್ ಆಸ್ಲೊ. ತಾಣೆ ಮಾತ್ರ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಚೊ ವೆಸ್ ಘಾಲ್ಲೊ.

ಥಂಯ್ ಪಾವ್ಲೊಲೊಚ್ ತೊ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾ ಭಾಷೆನ್ ಆವಾಜ್ ಕರುನ್ ನಾಚೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ, ಅಂಬ್ಯಾ ರುಕಾ ವಯ್ಲೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ತಾಕಾಚ್ ಪಳೆವ್ಯಾ ಲಾಗ್ಲೆ. ತವಳ್ ಥಂಯ್ ಉಮ್ಯಾಳ್ಯೊ ಏಕೆಕ್‌ಚ್ ಬೆಗ್ಡಿಚೊ ಸರ್ ತಾಣೆ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ಉಡಯ್ಲೊ. ತಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಸರ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಂನಿ ತಾಣೆ ಉಡಯ್ಲ್ಲೆಲೆ ಸರ್ ವೆಂಚ್ಲೆ ಆನಿ ಆಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಘಾಲೆ.

पुण तो बायलो मांकोड मात्र तो सर विचूंक आयलो ना. ताचे रिक तो थंयचो धावलो आनी थोड्याच मिनुटांनि तो पाटिं येताना ताच्या गळ्यांत समेत सर आसलो, पुण तो मात्र आपुट मोत्यांचो सर जावनासलो. थय आमिल्लोच, तुमचे कसले सर ? आसल्यार आसा जय असले सर पळेया म्हजो सर म्हण आपलेंच अटबर उल्हवंक लागलो.

तितले भितर हास्यगाराच्या इष्टांनि जाळ मारुन जाल्लें. आनी ह्या बायल्या मांकडा बराबर हेर थोडे मांकोड समेत त्या जाळांत सांपडले. चत्रायेन त्या बायल्या मांकडाच्या गळ्यांतलो सर काडून आपल्या गळयांतलो नकली सर त्या हास्यगारान मांकडाच्या गळ्याक घालो.

राण्येक आपलो सर मेळोन तिचें तोंड फुल्लें. मांकडांक कायिच जकम जालीना म्हण तिका समधान भोगलें. चोरांक सुक्षिमायेन धरुन राण्येची खंत परिहार केलेल्याक इनाम जावन रायान आपल्याच गळ्यांतलो सर काडून हास्यगाराच्या गळ्याक घालो. ह्यें पळेवन सगळे मांकोड रुका वयले देवंले आनी ताणि समेत आपापल्या गळ्यांतले सर काडून त्या हास्यगाराच्या गळ्याक घाले.

7 माणक्याक हस्त भियेली

त्या गावांत एकच तळें. तांतुं बिडार माणक्यांचें आनी त्या गावांत एकच हस्त आसली. तिका कसलेंच या कोणंच ईड नासलें. आपणाक सरी कोण ना म्हण हस्तिचें दर्भार चडलें.

चिंतलें तशी ति हस्त तळ्याक येत्ताली. फकत उदक पियेवंक मात्र नहिं, न्हावन आनी त्या तळयाचे उदक चारांयि कुशिनि शिंपडावन खेळोन ति मजा मार्ताली. हस्तिचें न्हाण आनी खेळ म्हळ्यार तिच्या पायां पंदाक सांपडाल्ल्या माणक्यांच्या जीवाक मात्र संचिकार.

हस्तिची इजा सासूक जायनासताना माणक्यांनि सभा जमयली. सकटांनि मेळोन हस्तिक मनवी अर्पून, आनी मुखार तिणे आपणाक धोसचें नहिं म्हुण मागचें म्हण केलें. माणक्यांचें मागणे आयकोन, हस्तिन सोंडयेन उदक वडून मार्तासताना भिरांकुळ शिलोवणी गाजली. माणके एकदम गाब्लें.

ಪ್ರುಣ್ ತೊ ಬಾಯ್ಲೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ಮಾತ್ರ್ ತೊ ಸರ್ ಮಿಜುಂಕ್ ಆಯ್ಲೊ ನಾ. ಆಖುಂಕ್ ತೊ ಘಂಯ್ಲೊ ಧಾಂವ್ಲೊ ಆನಿ ಘೊಡ್ಯಾಚ್ ಮಿನುಟಾಂನಿ ತೊ ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ತಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಸಮೆತ್ ಸರ್ ಆಸ್ಲೊ. ಪ್ರುಣ್ ತೊ ಮಾತ್ರ್ ಆಪ್ರುಚ್ ಮೊತ್ಯಾಂಚೊ ಸರ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲೊ. ಘಂಯ್ರ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾಚ್, ತುಮ್ಚೊ ಕಸಲೆ ಸರ್? ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಸಾಜಯ್ ಅಸಲೊ ಸರ್. ಪಳೆಯಾ ಮ್ಹುಜೊ ಸರ್ ಮ್ಹುಣ್ ಆಪ್ಲೆಂಚ್ ಅಬ್ಬರ್ ಉಲ್ಲಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ತಿತ್ಲೆ ಭಿತರ್ ಹಾಸ್ಯಗಾರಾಚಾ ಇಷ್ಟಾಂನಿ ಜಾಳ್ ಮಾರುನ್ ಜಾಲ್ತೆಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾ ಬರಾಬರ್ ಹೆರ್ ಥೊಡೆ ಮಾಂಕೊಡ್ ಸಮೆತ್ ತ್ಯಾ ಜಾಳಾಂತ್ ಸಾಂಪಡ್ಲೆ. ಜತ್ರಾಂನೀಸ್ ತ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ಲೊ ಸರ್ ಕಾಡುನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ಲೊ ನಕ್ಲಿ ಸರ್ ತ್ಯಾ ಹಾಸ್ಯಗಾರಾನ್ ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಘಾಲೊ.

ರಾಣ್ಯೆಕ್ ಆಪ್ಲೊ ಸರ್ ಮೆಳೊನ್ ತಿಚೆಂ ತೊಂಡ್ ಫುಲ್ಲೆಂ. ಮಾಂಕ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಂಯಿಂಚ್ ಜಕಮ್ ಜಾಲಿನಾ ಮ್ಹುಣ್ ತಿಕಾ ಸಮಧಾನ್ ಭೊಗ್ಲೆಂ. ಚೊರಾಂಕ್ ಸುಕ್ತಿಮಾಯೆನ್ ಧರುನ್ ರಾಣ್ಯೆಚಿ ಖಂತ್ ಪರಿಹಾರ್ ಕೆಲೆಲ್ಯಾಕ್ ಇನಾಮ್ ಜಾವ್ನ್ ರಾಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾಚ್ ಗಳ್ಯಾಂತ್ಲೊ ಸರ್ ಕಾಡುನ್ ಹಾಸ್ಯಗಾರಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಘಾಲೊ. ಹ್ಯೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಸಗ್ಳ್ಯೊ ಮಾಂಕೊಡ್ ರುಕಾ ಮಯ್ಲೆ ದೆಂವ್ಲೆ ಆನಿ ತಾಣೆಸಮೆತ್ ಆಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ಲೆ ಸರ್ ಕಾಡುನ್ ತ್ಯಾ ಹಾಸ್ಯ[illegible] ತೆ ಪರತ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದಿಸ್ಪೊಟ್ಟ್ಯಾ [illegible] ಲಾಗ್ಲೆ.

7 ಮಾಣ್ಯಾಕ್ ಹಸ್ತಿ ಭಿಯೆಲಿ

ತ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಏಕ್ಚ್ ತಳೆಂ. ತಾಂತುಂ ಬಿಡಾರ್ ಮಾಣ್ಯಾಂಚೆಂ [illegible] ತ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಏಕ್ಚ್ ಹಸ್ತಿ ಆ[illegible]

[illegible]

ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ತಿಚಾ ಪಾಯಾಂ ಪಂದಾಕ್ ಸಾಂಪ್ಡಲ್ಯಾ ಮಾಣ್ಯಾಂಚಾ ಜಿವಾಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಸಂಚಿಕಾರ್.

ಹಸ್ತಿಚಿ ಇಜಾ ಸೊಸುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ಮಾಣ್ಯಾಂನಿ ಸಭಾ ಜಮಯ್ಲಿ. ಸಕ್ಡಾಂನಿ ಮೆಳೊನ್ ಹಸ್ತಿಕ್ ಮನವಿ ಆರ್ಪುನ್, ಆನಿ ಮುಖಾರ್ ತಿಣೆ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಭೊಸ್ಟೆಂ ನಹಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಕೆಲೆಂ. ಮಾಣ್ಯಾಂಚೆಂ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಆಯ್ಕೊನ್ ಹಸ್ತಿನ್ ಸೊಂಡ್ಯೆನ್ ಉಚಕ್ ವಡುನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಮಾರ್ತ್ಯಾಸ್ತಾನಾ ಭಿರಾಂಕುಳ್ ಶಿಲೊವ್ನಿ ಗಾಜ್ಲಿ. ಮಾಣ್ಯೆ ಪಕ್ಡಮ್ ಗಾಬರ್ಲೆ.



पतुन तांची सभा जमली. ह्यौ पावटिं हस्त लागिं येताना, कवकड माणक्यांनि सांगाता एकाच ताळ्यान गरोज घालून तिका भेष्टावचें म्हण ठरायलें. हस्त आयली. माणक्यांनि गरोज मार्लो. पुण हस्त खंय आय काता या भियेता ? तिणें तांचें गुमान समेत केलें ना.

तिसऱ्यान माणक्यांची सभा जमली. पुण कितें सांगचें या कितें करचें? ह्यें कोणाच्याच मतिक आयलें ना. तवळ एकलो माणक्या पिलो उठलो. तुमी जर म्हजेर पात्येशात जाल्यार हांव एक उपायि कर्तलों – म्हणालो तो. उदकांत बुडलेल्याक तणा काडी लेगीन धरची बुध खय. तशें सगळे माणके दुसरो उपायि दिसानास्ताना त्या माणक्या पिल्याक पात्येवंक कबूल जाले.

त्या दिसा हस्त येताना व्हो माणक्या पिलो तिका मुखार रावलो. येदोळ केल्लें जालें. ह्या फुडें पुणि माणक्यांक उपद्र दिल्यार आपुण खंडित हस्तिचो जीव काडल्या शिवायि सोडिसोना म्हण कडक्क सांगालागलो तो.

हस्तिक अजाप. ति व्हड आवाज करुन हासली. आनी तिणे आपली सोंडी उकल्ली. त्ये सोंडयेची सावळी उदकांत पडली. माणक्या पिलो



ಪರ್ಬ್ಯಾನ್ ತಾಂಚಿ ಸಭಾ ಜವ್ಲಿ. ಹೆ, ಪಾವ್ಟಿಂ ಹಸ್ತಿ ಲಾಗಿಂ ಯೆತಾನಾ, ಶಿಕ್ಯಾಡ್ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಂನಿ ಸಾಂಗಾತಾ ಏಕಾಚ್ ತಾಳ್ಯಾನ್ ಗರೊಜ್ ಘಾಲ್ನ್ ತಿಕಾ ಬಿಷ್ಯಾಂವ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಠರಾಯ್ಲೆಂ. ಹಸ್ತಿ ಆಯ್ಲಿ. ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಂನಿ ಗರೊಜ್ ಮಾರ್ಲ್ಯೊ. ಪುಣ್ ಹಸ್ತಿ ಖಿಂಯ್ಚ್ ಆಯ್ಕ್ಯಾತಾನಾ ಯಾ ಭಿಯೆತಾ? ತಿಣೆ ತಾಂಚೆಂ ಗುಮಾನ್ ಸಮೇತ್ ಕೆಲೆಂನಾ.

ತಿಸ್ರ್ಯಾನ್ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಂಚಿ ಸಭಾ ಜವ್ಲಿ. ಪುಣ್ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಯಾ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ? ಹೆಂ ಕೊಣಾಚಾಚ್ ಮತಿಕ್ ಆಯ್ಲೆಂನಾ. ತವಳ್ ಏಕ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾ ಪಿಲೊ ಉಟ್ಲೊ. ತುಮಿ ಜರ್ ಮ್ಹಜೆರ್ ಪಾತ್ಯೆಶಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್ ಏಕ್ ಉಪಾಯ್ ಕರ್ತಲೊಂ ... ಮ್ಹಣಾಲೊ ತೊ. ಉದ್ಕಾಂತ್ ಬುಡ್ಲ್ಯಾರ್ ತಸಲೊ [illegible] ಧರ್ಜೆ ಬೆಧ್ ಖಿಂಯ್. ತಶೆ ಸಗ್ಳೆ ಮಾಣ್ಕೆ ದುಸ್ರೊ ಉಪಾಯ್ [illegible]ನಾ ತ್ಯಾ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾ ಪಿಲ್ಯಾಕ್ ಪಾತ್ಯೆಂವ್ಕ್ ಕಬೂಲ್ ಜಾಲೆ.

ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಹಸ್ತಿ ಯೆತಾನಾ ವ್ಹಡ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾ ಪಿಲೊ ತಿಕಾ ಮುಖಾರ್ ರಾವ್ಲೊ. ಯೆದೊಳ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಜಾಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ಪಡೆಂ ಪುಣಿ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಂಕ್ ಉಪದ್ ದಿಲ್ಯಾರ್ ಆಪುಣ್ ಖಂಡಿತ್ ಹಸ್ತಿಚೊ ಜೀವ್ ಕಾಡ್ತಾ, ಶಿವಾಯ್ ಸೊಡಿಸನಾ ಮ್ಹಣ್ ಕಠಿಣ್ ಸಾಂಗೂಲಾಗ್ಲೊ ತೊ.

ಹಸ್ತಿಕ್ ಅಜಾಪ್. ತಿ ವ್ಹಡ್ ಆವಾಜ್ ಕರುನ್ ಹಾಸ್ಲಿ, ಆನಿ ತಿಣೆ ಆಪ್ಲಿ ಸೊಂಡಿ ಉಕಲ್ಲಿ. ತ್ಯೆ ಸೊಂಡ್ಯೆಚಿ ಸಾವ್ಳಿ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಪಡಿ[illegible] ಮಾಣ್ಕ್ಯಾ ಪಿಲೊ

तत्क्षण त्ये सावळेचेर उडलो. उदक कदवळ्ळें आनी ति सावळी सैर भैर जाली.

"पळे, इतल्यारच हावें तुजी सावळी मारुन जाली. आतां पुणि तुं बऱ्या उत्रान आमकां सोडून वेतायगी या तुज्ये सोंडयेची सावळी मालेंले परिच तुकाच मारुन सोडूं ? सवाल त्या माणक्या पिल्याचें.

हुस्त थटाकली आनी पाटिं सरली. तवळ आपली सावळी उदकांत नपयंच जाल्ली तें खरें म्हण तिका दिसलें, आनी तिका खरीच भिरांत दिसली. आतां व्हो आपणाकयि लागाड काड्टा कोण्णा म्हण ति थर्थर्ली.

भियेल्ली हुस्त थंयसर रावलीना. आयलेले वाटेन ति पाटिं धावोंक लागली.



8 अंगलापाक निराशा

त्या एका बोंगल्याच्या पाटल्यान एक गुड्सुल. तांत एकली म्हातारी. तिका घर बदिक संतान कुटाम कायिंच नासले

ಅತ್ರೆಕ್ತೆಚ್ ತ್ಯೆ ಸಾವ್ಳೆಜೆರ್ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಉಡ್ಲೊ. ಉದಕ್ ಕದ್ವಳ್ಳೆಂ ಆನಿ ತಿ ಸಾವ್ಳಿ ಕ್ರಿರ್ಫಾರ್ ಜಾಲಿ.

“ಹಳೆ ಇತ್ಲ್ಯಾರ್‌ಚ್ ಹಾವೆಂ ತುಜಿ ಸಾವ್ಳಿ ಮಾರುನ್ ಜಾಲಿ. ಆತಾಂ ತ್ಯಾ ತುಂ ಜಲ್ಯಾ ಉತ್ರಾನ್ ಆವಯ್ಕಾಂ ಸೊಡುನ್ ಪೆತಾಯ್ಗಿ ಯಾ ತುಜೆ ಸೊಂಡ್ಯೆಚಿ ಸಾವ್ಳಿ ಮಾರ್ಲೆ ಪರಿಂಚ್ ತುಕಾಯ್ ಮಾರುನ್ ಸೊಡುಂ?’ ಸವಾಲ್ ತ್ಯಾ ಮಣಾಸ್ಯಾ ಘಾಲ್ಯಾಲೆಂ.

ಹಸ್ತಿ ಪಟಾಕ್ಲಿ ಆನಿ ಪಾಟಿಂ ಸರ್ಲಿ. ತವಳ್‌ಆಪ್ಲಿ ಸಾವ್ಳಿ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಸಮ್ಜಯ್ಲಿ ಜಾಲ್ಲಿ ತೆಂ ಖರೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತಿಕಾ ದಿಸ್ಲೆಂ, ಆನಿ ತಿಕಾ ವಿಶಿಂ ಖಿರಾಂತ್ ದಿಸ್ಲಿ. ಆತಾಂ ದ್ರೊಸ್ಟಿ ಆಪ್ಣಾಕ್‌ಯಿ ಲಾಗಾಡ್ ಕಾಣ್ಬಾ ಕೊಣ್ಣಾ ಮ್ಹಣ್ ತಿ ಘರ್ಘರ್ಲಿ.

ಭಿಂಯೆಲ್ಲಿ ಹಸ್ತಿ ಘಂಯ್ಸುರ್ ರಾವ್ಲಿಸಾ. ಆಯ್ಲಿಲೆ ವಾಟೆನ್ ತಿ ಪಾಟಿಂ ಪಾಪ್ಲೆಂಕ್ ಭಾಗ್ಲಿ.



8 ಅಂಗಾಲಾಪಾಕ್ ನಿರಾಶಾ

ತ್ಯಾ ಏಕಾ ಬೊಂಗ್ಲ್ಯಾಚಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ಗುಡ್ಸೊಲ್. ತಾಂತುಂ ಏಕ್ಲಿ ವಿಧ್ವಾ **ತಾರಿ.** ತಿಕಾ **ಘರ್** ಬದಿಕ್ ಸಂತಾನ್ ಕುಟಾವಳ್ ಕಾಯಿಂಚ್ ನಾಸ್ಲೆಂ.

कष्टांनि निसपेज जेवताली. पेजे सांगाता तोंडाक लावंक मिट मिरसांग समेत तिका नासली. जाल्यारी आपले दुर्भळ्कायेंत ति धादोशी.

अशें आसतां त्या गांवंचि गजेट बायल तिका भेटली. तुं इतली धादोशी कशी? तुका गत ना म्हण तुवें म्हण्चें तें भेष्टें. लिपवन चुकवन तुं खाताय पियेताय म्हणाली ति गजेट सायबिण. म्हातारी बावडी पयली उलहयली ना. गजेट सायबिणिचीं उत्रां तिका कोडु तीक लागलेलीं तरी तिं तिणे गिळून व्हेलीं. पुण संयभान ति मोवाळ, देखून तिका उलहयनासताना रावोंक जालें ना. बाये म्हाका मिटा मिरसांगेक गत ना. तरीपुण म्हजो निसपेज हांव रुचीन सेवतां. तें कशें जाणांयवे? पळे, तेणे पेल्यान तें बोंगल्यांचें कुजन आसा. दिस्पोट्टें थंयसर जिन्सांवार पक्वनांचि जेवणां शिज्तात. तांकां पर्मळीक फण्ण दितात. तो पर्मळीक वाट हांगासर घम घम मार्ता. म्हज्या तोंडांतल्यान उदक देवंता. त्येच घडये रुचीन म्हजो निसपेज व्हडा धादोस्कायेन हांव अमृत करतां.

ति गजेट सायबिण ह्यें आयकोन ओगी रावलें ना. घळायि नासताना तिणे हि खबर त्या बोंगल्याक पावयन जाली. त्या बोंगल्याची धनिन मात्र दोळ्यांत रगत नासलेली अंगाल्लाप्पि. हि खबर आयकोन ति उचंब्रळ जाली. कितें, आमच्या कुजनांतलो पर्मळ ति घेता? ह्याका तिणे फावोतें मोल दिलें जालें ना तर हांव पुणि तिका सोडिनगी? तिणे लेख केलें. वर्साक मरासर सयशीं रुपय तर, पेल्या पांच वरसांक तीन हजार रुपय जाले. हय त्ये म्हातारेन आपणाक तीन हजार रुपय फारिक करिज़य म्हण हिणें कोडतित व्याज मांडलेंच.

मुन्सुफदार ह्यें व्याज पळेवन गुस्पडलो. ह्यें आतां फायसल करुं नरी कशें म्हण तो मांड्डो कोरपूंक लागलो. कसलिच वाट ताका दिसलीना. तवळ ताणे आपले सगळे कोड्तींतच विशेस शाणो म्हण नांवाडलेल्या एकल्या प्रायवंत वकिलाची मजत मागली. तो वकिल एकदम चुरुक. घडिभर चितून ताणे मुन्सुफदाराक अशें सांगलें. धन्या ह्यें व्याज फायसल करुंक अमको दीस आनी वेळ तुं नम्यार. उलेंलें सगळें म्हजेर सोडचें.

[illegible] ಸಿಕ್ಚೆಲ್ [illegible] [illegible] [illegible] ತೊಂಯಾಕ್ [illegible] [illegible]
[illegible] ತಿ ಫಾವೆಸಿ.

